सगुणी भुरगीं

जयेश अ. राऊत

सगुणी भुरगीं

अणकार

जयेश अ. राऊत

सेरवीन बाबांक
मायेमाऊगान
जयेश

सगुणी भुरगीं

अणकार
जयेश अ. राऊत

पयली उजवडावणी
जून २०१६

© Fr. Agnel College of Arts and Commerce
उजवाडावपी

Fr. Agnel College Publications,
Fr. Agnel College of Arts and Commerce, Pilar, Goa - 403 203.
Phone : (0832) 2218673
E-mail : fragnelcol@yahoo.co.in

टंकलेखन
एविता देसौजा
बळकृष्ण चोपडेकार

मुखपृष्ठ / अक्षर जुळोवणी
सुप्रेश खर्बे

छापपी
श्रीपाद ऑफसेट,
व्हीनस कॉर्नर, कोल्हापूर.

मोल ७५/

मनोगत

महाविद्यालयांतल्या कोंकणी विभागाचें पयलें पुस्तक उजवडाक येता ही भोव खोशयेची गजाल. ल्हान भुरग्यां खातीरचें हें पुस्तक विभागांतले प्राध्यापक आनी विद्यार्थ्यांच्या परिश्रमाचें फळ आसा. बरो स्वभाव गूण ही एका आदर्श व्यक्तीची वळख आसता. समाज, घराबो, धर्म आनी शिक्षण हीं बरे गूण मेळोवपाची स्थळां. फा. आग्नेल महाविद्यालय पिलार ही एक शिक्षणीक संस्था आशिल्ल्यान बऱ्या गुणांचे ज्ञान बोध करपी हें पुस्तक आमच्या वावराची गवाय दिता. महाविद्यालयांत विद्यार्थ्यांक बऱ्या गुणांचें शिक्षण दिवपा खातीर दर म्हयन्याक खासा व्याख्यानाचें आयोजन जाता. ह्या व्याख्यान माळेंत सर्वधर्म सत्भाव, बरे गूण, बरे विचार आनी वागणूक सारकिल्ल्या विशयांचेर भर घालतात. आमच्या ह्या वावरांतल्यान हें पुस्तक उजवाडाक हाडपाचो विचार आयलो. ह्या विचाराक तेंको दिवन कोंकणी विभागान हो वावर हातान घेवन पुराय केलो.

माणकुल्या भुरग्यांची आपलीच भास आसता. तांचे हेच सादे सोंपे भाशेचो वापर ह्या पुस्तकांत जाल्ल्यान तीं मन लावन वाचतलीं आनी विशय समजून ते आपल्या दिसादिसपट्यां जिवितांत आपणावन घेतली हातूंत दुबाव ना. देवा कडेन मागिल्ली मागणीं, होरावणी आनी देख दिण्यो काणयो भुरग्यांच्या बयोगटाक मतींत धरुन रचल्यात. हे विशय हाताळटानां हेर भासांतल्या बाल साहित्याचो आदार घेतला.

ल्हान भुरग्यांनी बरे गूण आपणांवचे आनी वायट गूण सोडचे हो धेय आखून हें पुस्तक रचलां. पुस्तकांतलो मचकूर मतींत धरुन हें पुस्तक जाता तितल्या भुरग्यां मेरेन पावोवपाची आमची मोख आसा. गोंयकारांची माय भास कोंकणी, पुस्तक कोंकणींतल्यान आशिल्ल्यान थळाव्या भुरग्यांक हातूंतलो मचकूर आत्मसात करुंक सोयीचें जातलें.

ह्या पुस्तकाच्या वावराक जांणी तेंको दिला तांचे उपकार मानून यश आंवडेतां. पुस्तका वरवीं तुमच्या जिवितान बऱ्या गुणांची भर पडूं.

बरें मागून,

डां. फ्रेड्रीक रांड्रीगीस (एस.एफ.एक्स)
प्राचार्य

प्रस्तावना

भुरग्यांमदी बरे गूण आनी स्वभाव आसप हें खूब महत्वाचें आसता. तांचे हे गूण तांकां समाजांत मानान जगपाची संद दिता. वायट सवंय लागपाक वेळ लागना पूण बऱ्यो सवंय लावन घेवपाक खूब वेळ लागता. हाका लागून भुरग्यांक सतसत मार्गदर्शनाची गरज आसता. हें मार्गदर्शन तांकां तांच्या घरच्यां कडल्यान मेळटाच ते भायर पुस्तकांतल्यान लेगीत भुरग्यांक हाचें गिज्ञान मेळटा. भुरग्यांनी आदर्श जिवीत कशें जगचें, समाजांत कशें वागचें, नितळसाण कशी बाळगूची ह्यां महत्वाच्या विशयांचेर ह्या पुस्तकांत साद्या आनी सोप्या उतरांनी बोध दिवपाचो यत्न केला.

ल्हान भुरग्यां खातीर आशिल्ल्या ह्या पुस्तकांत प्रर्थना, देख दिण्यो काणयो आनी प्रसंग चित्रावन शिकवण दिवपाचो प्रयत्न केला. फा. आग्नेल म हाविद्यालय भुरग्यांनी बरे गूण आत्मसाथ करचे ह्या खातीर सातत्यान वावर करता, ह्या वावराची गवाय दिवपी हें पुस्तक. महाविद्यालयाचो कोंकणी विभाग कोंकणींतल्यान साहित्य निर्मणी करपाक वावर करता. ह्या वावराक विभागांतले विद्यार्थी पोट तिडकीन तेंको दितात. बाय एविता देसौजा आनी बाब बाळकृष्ण चोपडेकार ह्या विद्यार्थ्यांनी ह्या पुस्तकाच्या वावरांत मोलाचें योगदान दिलां.

हें पुस्तक उजवाडाक हाडपाक महाविद्यालयाचे प्रचार्य डॉ. फ्रेड्रीक रॉड्रीगीस आनी फा. आग्नेल कोलेज पब्लिकेशन पिलार हांणी आदार दिल्ल्या पासत आमी तांचे काळजासावंन उपकार मानतात. पुस्तकाचें मुखपृश्ट आनी पान म ांडावळ भौ. सुप्रेश खर्बे हांणी सुंदर तरेन केल्ले खातीर तांचे उपकार मानतां.

हें पुस्तक भुरग्यां मेरेन पावून आमचो सगूण बोध करपोचो हेतू साध्य जातलो ही आस्त बाळगितां.

जय गोंय जय कोंकणी

प्रा. जयेश अर्जून राऊत
साळ दिवचल गोंय

मांडावळ

क्रमांक	विशय	क्रमांक	विशय
१.	प्रार्थना	२९.	व्हडल्यांक मान दिवप
२.	मोगाळ देवा बाप्पा	३०.	जायते करपाचो वेळ आयलां
३.	देवाच्यो भेटी	३१.	पालकांचे आयकप
४.	सुंदर जग	३२.	शाळेंत
५.	म्हजी आवय	३३.	उगडास दवरपाच्यो गजाली
६.	बाबा	३४.	चूक मागपा खातीर मागणें
७.	म्हजी शाळा	३५.	आमकां रचपाचें कारण
८.	म्हजो हश्ट	३६.	दयेंतल्यान दया
९.	मोगाळ पालक	३७.	क्षमा करप
१०.	म्हजी भावंडां	३८.	दान होच धर्म
११.	कर्तव्यां	३९.	प्रामाणीक पण
१२.	निवळसाण	४०.	कृतज्ञताय
१३.	देचाचो उपकारी	४१.	स्वताची जतनाय घेवप
१४.	खोस दिणी वागणूक	४२.	मेकळो वेळ
१५.	देव देण्यांचो वापर	४३.	म्हजो शेजारी कोण
१६.	म्हजो देश	४४.	सामान्य शिस्त
१७.	आदाराची प्रार्थना	४५.	वेळाची शिस्त
१८.	देवान दिल्ली खास भेट	४६.	आमी सगळीं देवाची भुरगीं
१९.	पालकाक आदार	४७.	भोवतणची नितळसाण
२०.	जनवरांचेर मोग आनी माया	४८.	आपआदार
२१.	इश्टांकडेन वांटप	४९.	स्वार्थ
२२.	देवाचीं भुरगीं	५०.	प्रसन्नताय
२३.	खरो इश्ट	५१.	देव म्हळ्यार मोग
२४.	सत्यनिश्ठ जावप	५२.	देवाक सगळी खबर आसता
२५.	म्हजो शिक्षक	५३.	सत्यशीलताय
२६.	आमचो राष्ट्रीय झेंडो	५४.	प्रसन्नताय
२७.	म्हजी माय भूंय	५५.	संबंय
२८.	आमचे उत्सव		

प्रार्थना

महान देव बाप्पा

तुवं म्हाका धर्तरर धाडले

म्हजे खातीर हे जग घडयले

म्हाका हे सैम दिले

मळब, सूर्य, चंद्र दिले

मोनजाती, सुकर्णी, सवर्णी केली

आई बाबाचो मोग दिलो

भावा भयणीचो सागात दिलो

ज्ञान दिवपाक शिक्षक दिले

मजा करपाक इश्ट दिले

हाव तुज्या आवडीचो म्हण

म्हाका ह्यो भेंटी दिल्यो

तुजो मोग दाखोवंक

म्हजे खातीर हो संवसार रचलो

बाप्पा म्हज्या मोगाच्या

तुजे वाटेर हाव चलतलो

तुजे मोगाचे भुरगे जातलो.





मोगाळ देव बाप्पा

देवान सगळें घडयलां
आमकां आमचें जिवीत दिलां
माये मोगाळ पालक दिल्या
इश्ट आनी शिक्षक दिल्या
ताणे समेस्तांक रचल्या
आमचें सर्वस्व आमचो देव
तो आमचो रचनाकार
आमी तार्चीं मयेचीं
बाप्पा आमचेर नदर दरवता
आमची काळजी घेता
वायटाकांय पयस दवरता
आमचो बरो सांबाळ करता
भूक भागोवंक अन्न दिता
घालपाक सुंदर आंगली दिता
रावपाक थंड घर दिता
स्वस घेवपाक निवळ वारो दिता
सैम तोखेवपाक दोळे दिता
देव बाप्पा आमचो देणार



देवाच्यो भेंटी

देवान जायत्यो भेंटी दिल्यात
जगपाक सुंदर जग दिलां
पळोवंक अप्रूप सैम दिलां
वाऱ्यार धोलपी झाडा दिल्या
चिवचिवपी मुकणांमवणी दिल्या

कश्ट करुक दीस दिला
गोड निद्दक रात दिल्या
मोगाळ मनश्या दिल्या, सामाळ करुक पालक दिल्या
शिकावक शिक्षक दिल्या, खेळपा खातीर इश्ट दिल्या
ही म्हजी मायमोगाची, हाव ताचा गुणाचो
देवान म्हाका घट मूट कूड दिल्या
कुडीक जायत अवयव दिल्या, तांणी हाव बरी कामा करता
दोळ्यानी बरें पळयता, कानानी बरें आयकता
नाकान श्वास घेता, तोंडान जाय तितलेंच खाता
जिबेन बरें उलयता, पायानी चलता धावता
हातानी काम करता, चितपा खातीर तकली दिल्या
मोग करपाक काळीज दिला

सुंदर जग

हांव ह्या सुंदर जगांत जगतां
जगांत जायत्यो वस्तू आसात
कांय जित्यो, कांय निर्जीव
झाडां, मोनजातींक जीव आसा.
फारत, माती, वारो निर्जीव
हें सगळेंच देवान रचलां
जिवीत जगपाक समाज घडयला
तातूंत सगळे मनीस दिल्यात
तांकां वळखूंक नातीं केल्यात
देवान सगळें म्हजे खातीर केलां
म्हाकां ताणे आपल्या पासून केलां
आपल्या सारकीं जावपाक

म्हजी आवय

आवय म्हजी खूब मोगाळ

काम करता, घरूय सामाळटा

आवय म्हजी खूब काम करता

जायतो कश्ट करून त्राम सोमता

हासो तिचो खूब म्हांवाळ

म्हाका दिता ती पापयाचो व्हाळ

ती म्हाका हासयता, खूब किते शिकयता

जेवण तिचे सदाच रूचीक

दूयत आमलो काय घेता म्हजी काळजी

कामात तिच्या उमेद खूब

घरच्यांची ती मागाची, आमका सगळ्याक मानाची

निवळ रावून तिका खोम दिता

कपडे म्हळे करून त्राम दिता

तिचेर केव्हाच रागार जायना

बेगार जाय नामतना तिचे आयकाता

तिचेर केव्हाच तापना

हाव तिचेर आनी ती म्हजेर खूब मोग करता

म्हाका ती देवान दिल्या

बाबा

म्हजो बाबा खूब कश्ट करता
पोटा भरपा खातीर खूब त्रास काडटा
घरांत लागपी सगळ्यो वस्तू तो हाडटा
कपडे, पुस्तकां, जेवण आनी खेळणी हाडटा
म्हजो बाबा म्हाकां शिकयता.

आई बाबा सांगातान घरांत काम करतात
दोगांय मेळून संवसार चलयतात
बाबा म्हाका काणयो सांगतां.
पुस्तकांतल्यो वाचुनूय दाखयता
सत्य उलोवपाक सांगतां, मान दिवंक शिकयता
बाबान हाडिल्ली खेळणीं हांव केन्नाच मोडिना
तांणी हाडिल्ली सगळीं पुस्तकां नेमान वाचतां
हांव तांकां वाचपा खातीर खबरांपत्र हाडटा
कामां वयल्यान घरा येतकच तांचे बॅग घेतां
तो सांगता तें हांव आयकतां
तो काम करतना हांव ताका त्रास करी ना



बाबा म्हजो खूब मोग करतां, बाबाचोय हांव खूब मोग करतां

म्हजी शाळा

हांव एका व्हडल्या शाळेंत शिकतां

तातूंत पयलीं ते धाव्वी मरेचे वर्ग आसात

म्हज्या शाळेंत जायते चवे आनी चवयो आसात

म्हजे जायते शिक्षक आसात

हांव सदा शाळेंक वता

हांव शिक्षकांक मान दिता आनी तांचे आयकतां

हांव तांका सदाच बरो दीस आनी मात्र आवडेना

हांव सदा म्हजे पाठ शिकतां

मध्यंतराक हांव म्हज्या इश्टावांगडा खेळटां

खेळटना हांव इश्टावांगडा झगडना

हांव वर्गांत उलयना आनी इश्टांक त्रास करीं ना

शाळेंत म्हांका बरीं वागणूक शिकयतात

हांव म्हजो वर्ग निवळ दवरतां

म्हाका शाळा खूब आवडटा



म्हजो इश्ट

म्हज्या इश्टाचें नांव मायकल

तो म्हजो शेजारी

म्हज्या भाशेन तो आपल्या आवय बापाय वांगडा रावता

आमी दोगूय वांगडा खेळटात

सदांच एका मेकाची काळजी घेतात

तो आमगेर येता आनी हांव तांगेर वतां

थंय आमी वांगडा मेळून टी. व्ही. पळयतां

ताका खेळपाक हांव म्हजीं खेळणी दितां

तो म्हाकां ताजी सायकल चलोवंक दिता

म्हजो बाबा आनी ताजो बाबा इश्ट

आमी आमचे जल्म दीस मेळून मनयतात

आमी सण परबोय वांगडा मनयतात

आमी दोगूय माये मोगान रावतात

मोगाळ पालक

म्हज्या आवय बापायचेर हाव खूब मोग करतां

हाव ताका म्हजो देव मानतां

ताचे आयकून हाव म्हजो मोग दाखयता

हांव तांकां मान दितां

ती म्हजेर खूब मोग करतां

ताच्या मोग आनी मायेखातीर हाव ताचे उपकार मानता

हा।।व मागता तें तीं म्हाकां दितात

जर ते मेळना जाल्यार मस्ती करी ना

काम करतना हाव ताका त्रास करी ना

ताका खूश करपाक हाव खूब शिकता

शाळेतल्यो सगळ्यो खबरी ताका सांगता.

हाव ताचे खातीर प्रार्थना करता

ताच्या मुखार हाव शांत वागता

हाव म्हज्या भाव भयणिची काळजी घेता

ती खूश आसल्यार हाव खोशी जाता

म्हजीं भावंडां



सरीताक एक भाव आनी भयण आसा

सरीता तांचेर खूब मोग करतां

आपल्यो वस्तूं तांचे वांगडा वाडटां

तें तांकां आदार करतां

तांचे कडेन नमळायेन वागतां

ती न्हिदिल्ली आसतना केन्नाच बोवाळ करी ना

तें तांकां विचारी नासतना तांच्यो वस्तू घेय ना

ती शिकताना तें तांचे कडेन खेळपाक वच ना

तांकां जाय तेन्ना तें तांकां आदार करतां

तें तांचे कडेन केन्नाच झगड ना

तें तांची पुस्तकां केन्नाच पिनी नां

तांचे कपडेय लोळय ना

तीं सांगतां तें आयकतां

तें तांकां सद्दाच खूश दवरतां

कर्तव्यां

हाव व्हड जावन सुखी आनी घटमूट भुरगें जातलें

हे काय नेम म्हाका म्हज्या जिवितांत आदार करतले

हाव सदा सकाळी बेगीन उठ्ठालो

हांव सदा शाळेंक वतलो

हाव मन लावन अभ्यास करतलो

निदन्या पयली हाव म्हजे सगळे काम करतालो

हाव मस्त्या भुरग्या वागडा खेळचो ना

हाव सदा प्रार्थना करतालो

हांव खरें उलयतालो

हाव स्वातांची बरी जतनाय घेतालो

हांव रस्त्यार खेळचो ना

हांव मातयेंत खेळचो ना

हाव म्हजे कपडे लोळोवचो ना

हाव दिसातल्यान कमीत कमी एकदां न्हातलो

हाव रस्त्या वयले कायच खावचो आनी पिवचो ना

हाव हेनम बरे आनी सुखी भुरगो जावपा खातीर पाळटलो

निवळसाण



निवळ भुरगीं सगळ्यांक आवडटात

दिपक हो पांच वर्साचो एक भुरगो

दिपक सगळ्यांक आवडटा

तो निवळ कपडे घालता

तो नेमान न्हाता

तो दिसांक दोन फावटी दांत घासता

तो आपले केस सारके उगयता

तो आपलें नाक, दोळे आनी नाकश्यांची खास काळजी घेता

दिपक एक नितळ आनी निवळ भुरगो

तो शाळेत वा घरांत पडिल्ले कागद एकठांय करता

उपकाराक नाशिल्ले कागद तो कचऱ्याच्या डब्यांत उडयता

तो खंयसरूय थुकना, धुल्यान खेळ ना

कपडे आनी पुस्तकां सारकी दवरता

तो सवकास आनी जतनायेन खाता

तो निवळ भरग्यां वांगडाच खेळटा

तो दुसऱ्या भुरग्यांक निवळ रावपाक आदार करता

सगळेच दिपकाक बरो भुरगो म्हणटात

देवाचो उपकारी

देवाचे उपकार मानपा सारक्यो कांय गजाली

बऱ्या दिसा खातीर उपकार मानतां

पुराय दीस म्हज्या वागडा राविल्ले खातीर उपकार मानतां

शिकिल्ल्या पाठा खातीर उपकार मानतां

त्रासाकाय रक्षण केल्ले पासत उपकार मानातं

इश्टा वागडा खेळूक वेळ दिल्ल्या पासत उपकार मानतां

आवयबापूय दिल्ल्या पासत ताचे उपकार मानता

जेवण दिल्ले खातीर उपकार मानता

घालपाक दिल्ल्या कपडया खातीर उपकार मानतां

बरी भलायकी दिल्ले पासत हाव ताचे उपकार मानतां

उजवाड आनी उब दिवपी सूर्य दिल्ले पासत उपकार मानतां

सुदर जगाचो आनद घेवपाची सद दिल्ल्या खातीर हाव उपकार मानता

म्हाका जगपाची सद दिल्ले खातीर हाव देवाचे इपकार मानतां.



खोस दिणी वागणूक

नरेश हो नमळायेन भरिल्लो भुरगो

सगळेच ताचेर मोग करतात

ताच्या तोंडार सद्दांच हांसो आसता

ताणे कितेंय वायट केल्यार तो रोखडोच चूक मागता

तो केन्नच फट उलयना

ताका जाय आशिल्ली वस्त तो नमळायेन मागता

वस्त मेळ्ळ्या उपरांत उपकार मानता

तो कोणाकडेन वायट वाग ना

तो वर्गांत केन्नाच झगडीं करी ना

तो केन्नाच दुसऱ्यांची खेळणी माग ना

तो दुसऱ्यांची पुस्तकां केन्नाच पिनी ना

दुसऱ्यांक विचारल्ल्या बगर तो तांचे कायच घेय ना

दुसरी शिकता आसतना तो केन्नाच त्रास करी ना

तो केन्नाच हट्ट करी ना

आमी नरेशा वरीं नमळायेन वागूंक जाय.

देव देण्यांचो वापर

देवान म्हाका जायत्यो भेंटी दिल्ल्यात

हांव तांचो बरो उपेग करता

हाव बागेंतल्या फुलाचो आनंद घेता

हाव झाडा लावन ताका वाडयता

सवण्याच्या म्होवाळ गिताचो आनद घेता

हाव जेवणाचो आनंद घेता

हाव मोनजातीं कडेन खेळटा

हाव तकलेचो वापर करुन शिकता

हाव सगळ्याचेर काळजा सावन मोग करता

हाव सगळ्याचो उपेग सुखी जिवीत जावपा खातीर करता

म्हजो देश

भारत म्हजो देश

हांव भारताचेर मोग करता

हांव म्हज्या देशार मोग करता

म्हाका म्हज्या देश्याचेर अभिमान आसा

म्हजो जल्म हांगांच जाल्लो

ही म्हज्या आवय बापायची भूंय

ही म्हजी आवय भूंय

हांव ह्या भुंयेर रावतां

हांव म्हज्या देशांत व्हडलो जाला

देश म्हजो सांबाळ करता

देशान म्हाका सगळे दिलां

हांव म्हज्या देश्याची सेवा करतलो

आदाराची प्रार्थना

हे सर्वशक्तिमान देवा म्हाका आशिर्वाद दी.

म्हाका बरी भलायकी दी.

बरो शिकपाक आदार दी.

पालकाचें आनी शिक्षकाचें आयकूपाक धीर दी

ताका आयकून समजूपाची ताक दी.

बऱ्या वायटाची जाणवाय दी.

सगळ्याचेर मोग करपाची शक्त दी

शांत स्वभावाची भेट दी

तुजें उतर पाळूंक बळगें दी

तुजे मेरेन पावपाची वाट दी

वायट कामाकाय पयस वचपाची बुद्द दी

प्रमाणीक पणान जगूक आदार दी

म्हाका बरे भरगे जावपाक सात दी.

देवान दिल्ली खास भेट

देवान म्हाका जायत्यो भेटी दिल्यात. ताणें म्हाकां सुर्य, चंद्र, झाडां, मोनजाती, वारें, उदक आनी साबार गजाली दिल्यात. ताच्या ह्या भेटीं शिवाय आमकां जागूंक जावचें ना.

देवान आमकां सुंदर कूड दिल्या, जातूंत दोन दोळे, नाक, तोंड, जीब, हात, पांय, दांत दिल्यात. मोनजाती वरीच आमी आयकूंक, पळोवंक, वास घेवपाची शक्त दिल्या.

पूण मोनजाती आमच्या वरी चितूंक शकनात. तीं कितें करतली तें थारावंक शकनात. देवान आमकां बुद्द, काळीज आनी उत्कें मन दिलां, जें ताणें जनावरांक दिल्ल्या भेंटीकांय वेगळे आसा.

देवान आमकां चिंतपा खातीर बुद्द दिल्या आनी शिकपाची तांक दिल्या. आमचे विचार मांडपाक भास दिल्या. मोनजातींचो विकास आमचे इतलो जावंक ना. आमकां मात श्रेश्ट जावपाचें वर्दान दिलां.

देवान आमकां एका मेकाचेर मोग करपाक काळीज दिलां, आमी आमच्या वांगडा आसतल्यांचेर सदांच मोग करूंक जाय, आमी गरीब, दुबळे, दुवेंत आनी जाणट्यांचेर मोग करूंक जाय. देव आमचेर सगळ्यांचेर मोग करता.

बरें वायट आमी चितून थारावंक जाय. देवान आमकां बरें वायट समजुपाची शक्त दिल्या ती वापरुन आमी सदांच बरें करपाक जाय.

देवाक हांव उतर दितां हांव सदाच जें बरें आसा तेच करतलो.

देवान आमकां दिल्ल्यो ह्यो खास भेंटी तो आमचेर मोग करता हें सिध्द करता.

पालकांक आदार

म्हजे पालक म्हाका खूब लार्गाचे.
ते म्हजेर खूब मोग करतात.
म्हजी खूब जतनाय घेतात.
ती म्हाका बरें जिवीत जगपाक शिकयतात.
भलायकेन बरो जावपाक सांगतात.
ताका हावे म्हजे पाठ सदाच केल्ले जाय.
तीं म्हजे खातीर खूब कश्ट करतात.
ताका हाव म्हज्यान जाता तसो आदार करता.
हाव ताका केन्नच दुखी करी ना.
ती सागतात तें आयकून हाव ताका आदार करता.
हाव ताचो मोग करता ताका मान दितां.
हाव म्हज्या आवयबापायक जायत्या तरानी आदार करतां.
आवयक घर नितळ दवरपाक आदार करतां.
म्हज्यो सगळ्यो वस्तू सारक्यो जाग्यार दवरता.
हाव स्वताच शाळेक वचपाक न्हेसता.
म्हजी हातरुणा घडी करुन जाग्यार दवरता.
बापायच्या वस्तूक हात लायना.
ताका विचारल्या शिवाय ताच्या वस्तूक हात लायना.
हाव ताका वाचताना वा काम करतान त्रास करी ना.
म्हजी शाळेतली आनी घरची कामा हावूच करता.
म्हज्या पालकाची काळजी घेवन हाव ताका खुशाल दवरता.
म्हजे पालक म्हाका देवाची मोगाळ भेट.

जनवरांचेर मोग आनी माया

देवान मनश्या वांगडाच जनवरां आनी सवणी रचल्यात जीं आमच्या मदीं जगतात. तांकां देवान रचल्यात म्हूण आमी तांचेर मोग करूंक जाय तशेंच माया दाखोवंक जाय. जेन्ना मेरेन आमी तांकां लुकसाण करी नात तीं आमकां त्रास करी नात. देवाक आमी एका मेकांक आदार केल्लो जाय.

एक पिटर नांवाचो चलो आशिल्लो. तो एक मस्तो भुरगो आशिल्लो. जनावरांक दुखयल्यार तो खूश जातालो. झाडांवयल्या सवण्याचेर तो फातर मारतालो. न्हिदिल्ल्या सुण्यांचेर तो खोंट मारतालो. तो माजरांच्यो शेंपड्यो ओडटालो. तो किड्यांचे पाय हुमटून काडटालो. पिटरान अशें करचें न्हंय म्हूण ताका जायत्या जाणांनी सांगले, पूण तांचे पिटरान केन्नाच आयकूंक ना.

एक दीस जेसन एका झाडा पोंदा सावळेक बसून विसव घेतालो. कांय भुरगें रस्त्यावयल्यान वताले. झाडाक लागिल्ली फळां पळोवन ते झाडार फातर मारपाक लागले. एक फातर पिटराच्या तकलेर पडलो. ताच्या तकलेंतल्यान रगत येवपाक लागले. ताका खूब दुखपाक लागले आनी तो भियेलो. पिटरान आदारा खातीर उलो मारलो पूण ते भुरगे पळून गेले. ताका दुसऱ्यान कोणेतरी पळयलो.

पिटर मोनजातीकडेन वायट वागतालो हें तो मनीस जाणा आशिल्लो, तरी तो ताका आदार करपाक आयलो. ताणें पिटराक म्हळे, तूका जशे दुखता तशेंच जनावरांकूय दुखता. पिटरान दूख सोसलें, मार लागलो तेन्ना तो खूब भिलो. जनवरां आनी सवण्याकूय दूख जाता.

आमी जनावरांचेर मोग करीत जाल्यार तिवूंय आमचेर मोग करतात. आमी आमची माया तांचे कडेन बरें रावून, तांकां खावपाक दिवून दाखोवंक शकतात. तांकां खुशाल रावपाक आवडटा. तीं आनी आमी बरीं इश्ट जांव शकतात. आमी जनवरांकडेन केन्नाच वायट वागूंक जायना.

इश्टांकडेन वांटप

आपल्या कडेन कितें आसा तें हेरां कडेन वांटपाक जाय. देवान आपल्यो सगळ्यो वस्तू आमच्या वागडा वाटल्यात. सूर्य, चंद्र, नकेत्रां, उदक, वारें, झाडा सगळे देवाचें. आमी ह्या सगळ्याचो वापर करतात.

आमी सूर्याची गर्मी वांटतात, उजवाड वाटून घेतात आनी स्वास घेतात, उदक पितात, देव ह्यो सगळ्यो गजाली आमच्या मदी वांटता.

एक दीस शिलाची आवय दुवेंत पडली. तिचे कडेन शिला खातीर जेवण करपाक जाले ना. शिला जेवण घेयनासताना शाळेक गेलें. जेवणाचो वेळ आयलो तेन्ना तें रडपाक लागले. ताका भूक लागिल्ली आनी हेर भुरगी खातालीं.

ताच्या वर्गातल्या एका चलयेन ताका पळयले. ताणें शिलाक आपोवन आपल्या जेवणाचो थोडो वाटो ताका दिलो. जेवण वाटून घेवन ती दोगाय खुशाल जाली. शिला आनी ती चली उपरात घट्ट इश्ट जाली.

वाटप सगळ्यांक खुशाल करता. आमच्या शाळेंत, घराकडेन लागपी जायत्यो गजाली देव आमका वाट्टा. आमका शाळेंत पेन, पेन्सील, पुस्तक, काट्नाची गरज आसता. आमी शळेंत ह्यो वस्तू आपल्या इश्टा वागडा वाटपाक शिकपाक जाय. ज्या इश्टाक गरज आसा ताच्या वागडा आमी आमचें गिन्यानूय वाटूक शकतात. देवान आमचे कडेन वाटला. ताच्यो ह्यो भेटी आमी सगळ्या वागडा वाटूया.

देवाचीं भुरगीं

देव आमचो मोगाळ बापूय, आमी ताची भुरगीं. तो आमचो मोग आनी सांबाळ करता. ताच्या भुरग्यांकडेन तो शांत आनी दयाळू पणान वागता.

आमच्यो चूको भोगसुपाक तो सदांच तयार आसता. राजू स वर्साचो भुरगो. तो एक बरो भुरगो. तो नेमान शाळेक वता. तो बरो शिकता. तो आपल्या पालकांक आनी शिक्षकांक मान दिता. तो कोणाच कडेन वायट वागना. तो सगळ्या इश्टाकडेन शांततायेन वागता. हेंच एक देवाचें भुरगें करता.

एक दीस ताणें दोग भुरग्यांक पेन्सी लेखातीर झगडटना पळयले. दोगूय ती पेन्सील आपली म्हणटाले. ताचे कडेन एकूच पेन्सील आशिल्ली. राजूकडेन आनी एक पेन्सील आशिल्ली. ताणें ती पेन्सील एकट्याक दिवन झगडनाकात म्हूण सांगले. दोगूय भुरग्यानी एका मेकाची चूक मागली आनी ते बरें इश्ट जाले.

आमी सगळ्यांनी राजू वरीं जावचें अशें देवाक दिसता. एका मेकाचेर मोग करून जतनाय घेवप हो आमचो धर्म. शिकप हो आमचो धर्म.

आमी पुस्तकांची बरी काळजी घेवंक जाय. आमचो वर्ग निवळ दवरूंक जाय. आमी शाळेंत मेळून खेळपाक जाय. पालक, शिक्षकांक मान दिवप हो आमचो धर्म. आमचे खातीर पालक देवा सारके आसतात. ते आमची बरी काळजी घेतात. आमचे शिक्षक आमकां नव्यो गजाली आनी बरी वागणूक शिकयतात. ते आमकां सगळ्या वटेन आदार करतात.

आमी देवाची भुरगीं आशिल्ल्यान आमी शांत, मोगाळ, आदार करपी आनी भोगसुपी आसूंक जाय.

खरो इश्ट

सजू, राजू आनी सुरज हे तीन इश्ट एका गांवांत रावताले. ते वांगडा खेळटाले आनी एकाच बर्सीन शाळेंत वताले. ते एकाच वर्गांत शिकताले. एक दीस सजून राजूक म्हळे सजू आमी शाळेक वचे न्ही रानांत खेळूक या.

राजूक ही गजाल मानवूंक ना. ताका शाळेक वचून उपरांत खेळपाक वचपाचे आसले. ताका ताच्या पालकाक आनी शिक्षकाक फट सांगपाची नासली. ताणे सजूक आनी सुरजाक सागले, आमी पयली शाळेंत वचून उपरांत पालकाक सांगून रानांत खेळपाक या.

पूण सजू आनी सुरज ताचे आयकले ना. राजूक थंयच सोडून ते खेळपाक गेले. राजून ताका थामोवपाचो प्रयत्न केलो पूण ते ताचेर रागार जाले. ताच्या उपरात ते दोगूय शाळेक नेमान येनासले.

परिक्षा लागी पाविल्लयो. सजून आनी सुरजान आभ्यास करूक नाशिल्लो. राजून आमका मदत करची अशे ताका दिमताले. राजून ताकां सागले, हाव तुमका आदार करता पूण तुमका म्हज्या घरा येवचे पडटले. ते दोगूय तायार जाले. ते राजूकडेन केन्नाच उलोवपाचे नाशिल्ले.

राजू आपल्या इश्टाचेर खूब मोग करतालो. ताणे ताकां वायट कामा करपाकाय वाटावपाचो प्रयत्न केलो. तो ताका परत आदार करपाक तयार आशिल्लो पूण परिक्षेत फटोवन नागोवन न्ही.

जो मनीस तुका वायट करपाक सांगता तो तुमचो इश्ट न्हय. सजू खरो इश्ट न्हय. तो राजूक वायट करपाक सागतालो. असले मनीस केन्नाच बरे इश्ट जायनात.

खरो इश्ट तुमका सदाच बरें काम करपाक सागता. वायट काम करतल्याक तो आडायता. गरजे वेळार तो आदार करपाक तयार आसता.

सत्यनिश्ठ जावप

हांव सदांच सत उलोवपी जांव शकता. हांव म्हज्या पालकां कडेन, शिक्षकां कडेन, इश्टां कडेन, भावाभयणांकडेन सत्यान वागूंक शकता. हांव तांकां खरें सांगून सत्यनिश्ठ जावंक शकता. हांव खरें सांगपाक भिवूंक फावना.

एक दीस रीमान आपल्या पोरसांतलीं फूलां काडली. रिमाचो बापूय ह्या पोरसाची बरी देखरेख करतालो. कोणाकूच फूलांक हात लावपाक दिनाशिल्लो.

तो जेन्ना घरा आयलो तेन्ना ताणें आपल्या पोरसांतली कांय फूलां ना जाल्ली पळयली. रागार जावन ताणें रीमाक आपयलें. हें कोणे केलां? हांव ताका बरोच धडो शिकयतलो. बापायचो राग पळोवन रीमा भियेलें. ताणे हळूच तकली वयर करून बापायक पळयले. ताच्या दोळ्यांतल्यान दुखां आयली. रीमान म्हळे, चूक जाली, पप्पा हावेंच ही फूलां तोडल्यात. म्हाका ती सुंदर दिसली. हावें ती म्हज्या इश्टांक दिवपाक काडिल्ली.

बापायक ताचेर काकळूट आयली. ताणें ताका तापोवंचें साणून मायेन वेगेंत घेतलें आनी म्हळें, बाय म्हाका तुजेर गर्व आसा. तुवेंन चूक मानली आनी खरें सांगले. तुका जाय जाल्यार तुज्या इश्टांक दिवपाक आनींक फुलां काड.

आमी खरें उलयल्यार मन शांत उरता. खरें उलोवपी मनशांचेर सगळेच मोग करतात.

म्हजो शिक्षक

म्हजो आवडीचो शिक्षक आनंद मास्तर

तो आमकां कोंकणी शिकयता.

तो आमका बरी वागणूक शिकयता.

तो तांच्या वर्गांत सदांच वता.

तो सगळ्या भुरग्याचेर मोग करता.

तो सगळ्या कडेन शांततायेन वागता.

दुवेंत पडल्यार तांची काळजी घेता.

विध्यार्थ्यांक आदार करपाक ताका खोस भोगता.

हाव ताचेर खूब मोग करता.

हाव ताका खूब मान दिता.

तिणें शिकयिल्लो पाठ सदाच शिकता.

तो सागता तें हाव करता.

हाव ताचें सदाच आयकता.

ताणें विचारिल्ल्या प्रस्नाक शांतपणान जाप दिता.

तो शिकयताना हाव लक्ष दिवन आयकता.

म्हजो शिक्षक म्हाका देवान दिल्ली भेट.

आमचो राष्ट्रीय झेंडो

दर एक देशाचो आपलो राष्ट्रीय झेंडो आसता. त्या देशाचो तो प्रतीक आसता. आमच्या देशाचो झेंडो तीन रंगाचो आसा. वयलो रंग भगवो. बलीदानाचो प्रतीक.

मदलो रंग धवो शांतीचें, अहींसेचें आनी सत्याचें प्रतीक. सकयल्लो रंग पांचवो. हो आमच्या देशाचो उदरगतीचें प्रतीक. झेंड्याच्या मदीं चक्र आसा जें बऱ्या वागणूकेचें प्रतीक.

भारत १५ ऑगस्ट १९४७ वर्सा स्वतंत्र जालो. आमचो झेंडो सगळ्या सरकारी कार्यालयांत फडकयतात. दर वर्सा १५ ऑगस्टाक प्रधान मंत्र्याच्या हातान लाल किल्ल्यार झेंडो फडकयतात.

जेन्ना देश दुखांत आसता तेन्ना झेंडो बागोवन दवरतात. अशें करुन पुराय देश आपले दूख व्यक्त करता.

आमी आमच्या तिरंगी झेंड्याचो आदार करपाक जाय. ताका सदांच मान दिवंक. झेंड्याक मान दिवप म्हळ्यार देश्याक मान दिवप. देशाच्या झेंड्याचो अपमान जाल्यार आमकां दूख जाता.

म्हजी माय भूंय

भारत म्हजी आवयभूंय.
म्हाका म्हज्या आवय भूंयेचेर गर्व आसा.
हाव म्हज्या देशाचेर मेग करतां.
म्हजो जन्म भारतांत जालो.
हाव ह्या मातयेंत जगतां.
ती म्हाका जाय तें दिता.
म्हज्या घरच्याची, म्हज्या शाळेची, इश्टांची ती काळजी घेता.
म्हजे ती जाता ते परीन रक्षण करता.
भारत एक व्हड देश.
ताका जायतीं राज्यां आसात.
हातूत जायतो लोक जगता.
ते साबार भासो उलयतात.
वेगवेगळे कपडे घालतात.
वेगवेगळे तरेन प्रार्थना करतात.
एका मेकाकाय वेगळे दिसतात.
ते सगळे भरतीय आसता.
ते सगळे म्हजे भावभयणी.
ताका देवान घडयला.
भारत एक सुंदर जमीन.
तातूत जायत्यो न्हयो आसात.
तातूत जायते दोंगर आसात.
जायती मळां आसा.
दोंगल्लयो आसात.
जायते वेगवेगळे वाठार आसात.
भारताची जमीन पिकाळ आसा.
भारताचेर म्हाका गर्व आसा.

आमचे उत्सव

स्वतंत्रता दीस, गणतंत्र दीस, गांधी जयंती दीस हे आमचे उत्सव. पुराय देश हे उत्सव मनयतात.

आमी १५ ऑगस्ट स्वतंत्रता दीस मनयतात. १९४७ वर्सा ह्यांच दिसा आमकां स्वतंत्र मेळिल्ले. २६ जानेवरीक आमी गणतंत्र दीस मनयतात. ह्या दीसा १९५० वर्सा आमी आमचें संव्विधान आपणायल्ले.

२ ऑक्टोबर १९६९ वर्सा पोरबंदर हांगा महात्मा गांधीजींचो जल्म जाल्लो. दर वर्सा ह्या दिसा आमी गांधी जयंती दीस मनयतात. आमी आमच्या राष्ट्रपिताक आमचो मोग दाखयतात.

आमी आमचे सगळे राश्ट्रीय दीस व्हडा दबाज्यान मनोवंक जाय. आमच्या देशाचेर आमकां गर्व आसूंक जाय. जशीं आमी हेर उत्सवां वेळार मजा करतात तशीच ह्या राश्ट्रीय उत्सवां वेळार करूंक जाय.

व्हडल्यांक मान दिवप

बरीं भुरगीं आपणाकांय व्हडल्यांक सदांच मान दितात आनी तांचो आदर करतात. तांचे कडेन आमचे काय चड गिन्यान आसता. ते आमका बरे मार्गदर्शन दितात.

राजू नांवाचो एक चलो आशिल्लो. ताच्या गांवां कुशीक एक रान आशिल्लें. ताच्या व्हडल्या भावान ताका रानांत एकटो वचनाका म्हूण सांगिल्लें. थंय रानटी जनावरा रावताली. पूण राजून ताचें आयकूंक ना. तो रानांत मोगली वरी खेळपाक गेलो. ताका दिशिल्लें तो गांवांत परत येवपाची वाट विसरचो ना. राजू वाट विसरलो आनी रात जायत आयली. आतां ताका भंय दिसपाक लागलो आनी भूक लागिल्ली.

ताच्या भावाक ताच्या वांगडा खेळपाचें आशिल्लें पूण राजूचो पत्तोच ना तें पळोवन ताणे आपल्या बापायक सागले. बापायन एक व्हड टार्च घेतलो आनी ते दोगूय रानात गेले. बरोच वेळ सोदल्या उपरांत तांकां राजूचो रडपाचो आवाज आयलो. राजू तांकां एक झाडापोदा गुटली करून बशिल्लो मेळ्ळो. व्हड भावाक पळयतकूच ताणें धावत वचून ताका वेंग मारली. ताणे म्हळे हाव सदाच तुजे आयकतलो, अशें केन्नाच करचो ना.

आमी व्हडल्या कडच्यान शिकतात, तें आमकां बरी वागणूक आनी बरे गूण शिकयतात. ते आमचे रक्षण करतात.

आमचे व्हडले आमचे घर साबाळटात, आमी दुवेंत पडल्यार आमची सेवा करतात. गरज पडल्यार आदार करतात. आमचे पाठ शिकपाक आदार करतात. आमचे खातीर खूब कश्ट काडटात.

बऱ्या भुरग्यानी व्हडल्या कडेन बरेपणान वागूक जाय. ताका मान दिवक जाय. तीं सांगता तें आयकूक जाय.

जायते करपाचो वेळ आयलां

मनशान बऱ्यो गजाली करपाक वेळ काडूंक जाय. हाका लागून आमचे भितर बरे गूण येतले, आमकां मजा येतली आनी आमी मस्ती करची नां.

देवा कडेन उलोवपाक वेळ काडात. ताका लागून देव तुमच्या लागी येतलो. जायत्यो बऱ्यो वस्तू दिल्यापासत ताचे उपकार मानात. आमी कितेय वायट केल्यार गुन्यांव भोगसूंक सांगात. ताचे कडेन बरे भुरगे जावपाक आदार मागात.

शिकपाक आनी हेर कामां करपाक वेळ काडात. हें तुमकां सफळ जावपाक आदार करतलें. तुमी तुमचे पाठ सदांच शिकूंक जाय. घरपाठ नेमान करूंक जाय. स्वताक निवळ दवरुंक जाय. आपल्यो वस्तू नितळ दवरुंक जाय. खेळपाक वेळ काडात. तें तुमकां घटमूठ दवरतलें. तुमी शिकल्या उपरांत व्यायाम करूंक जाय. मजा करपाक वेळ दियात. तें तुमकां खुशाल करतलें. तुमी तुमच्या लागिच्या वांगडा वेळ काडात. तुमी पुस्तकां वाचूंक शकतात, गावंक शकतात, चित्रां काडूंक शकतात.

न्हिदपाक वेळ दियात. तातूंतल्यान तुमी आनीक सक्रीय जातले. रातचे चड वेळ जागे रावूंक जायना आनी उसरां उठूंक फावना. ह्यो संवय तुमकां आळशी करतल्यो.

हेरांक आदार करपाक वेळ काडात. हें तुमकां आनी हेरांक खुशाल दवरतलें. तूं तुज्या आवय बापायक घरांत आदार दिवंक शकता. तूं तुज्या शिक्षकांक आनी इश्टांक शाळेंत आदार दिवूंक शकता. घराकडेन येवपी गरीब दुबळ्यांक जेवण पयशे दिवंक शकता. देवान तुका सगळे करपाक वेळ दिला. ताचो बरो वापर कर.

पालकांचे आयकप

म्हजे पालक म्हाका देवान दिल्ली भेंट.
म्हाकां तीं खूब अपुर्बायेचीं.
तांणी म्हाका जिवीत दिलां.
तीं म्हजे खातीर देवा सारखीं.
म्हजे पालक म्हाजेर मोग करतात.
म्हजी बरी काळजी घेतात.
ती म्हाका जेवण, कपडे आनी पुस्तकां दितात.
म्हाका जाय तें तीं हाडुन दितात.
हाव दुवेंत आसल्यार म्हजी काळजी घेतात.
म्हाका सगळ्या परीन आदार करतात.
ती म्हाका खुशाल दवरतात.
ती म्हाका बऱ्यो गजाली शिकयतात.
म्हजे खातीर कितें बरें तें तीं जाणात.
तांणी सांगिल्ले सगळे हाव आयकतां.
तीं म्हजेर खुशाल आसात.
हांव नेमान शाळेक वता.
हाव सकाळी बेगीन उठ्ठा.
हाव वेळार शाळेक वचपाक तयार जाता.
तांणी सांगल्यारूच हाव टि.व्ही पळयता.
तीं सांगता त्याच भुरग्या वागडा हाव खेळटा.
तीं व्हरतात तेन्नाच हाव बाजारात वता.
अनवळख्या वागडा हाव खयच वचना.
म्हजे पालक सांगता ते हाव करता.

शाळेंत

नुतन शाळेंत दुसरेच्या वर्गांत शिकता.

ताच्या वर्गांत जायती भुरगीं आसात.

ताका जायते शिक्षक आसात.

तें बरें म्हूण तीं सगळीं ताजेर मोग करतां.

तें पाठ सदांच शिकतां.

सद्दां वेळार शाळेक वतां.

ताचे शिक्षक म्हणटात बरीं भुरगीं सदांच शाळेक वेळार पावतात.

तें शाळा सोपसर शाळेच्या दुरगा भायर वचना.

तें ताच्या शिक्षकांक आनी इश्टांक मान दितां.

शिक्षकांक उबें रावन जाप दितां.

शिक्षकान दिल्ले काम नुतन उमेदीन करतां.

हांव नुतना सारकेच बरें भुरगें.

हांव बरें भुरगें जावचें म्हूण शिक्षकांचें आयकतां

हांव वर्गात इश्टांक त्रास दिना.

हांव शाळेंत जायत्यो गजाली शिकतां.

हांव खेळ खेळटा, हांव गायतां, हांव चित्रां काडटां.

हांव शाळेतल्या सर्तींत उमेदीन वांटो घेता.

हांव व्हड जावनबरें भुरगें जातलेच.

उगडास दवरपाच्यो गजाली

ह्या पुस्तकांत सांगिल्ल्यो बऱ्यो गजाली तुमी आपणावंक जाय. त्यो शिकोवपाचो प्रयत्न केलां. आनी काय वायट गजालींचेर उजवाड घाला ज्यो तुमी करूंक फावना.

काय करपा सारख्यो गजाली:

१. आमी देवाचेर मोग करपाक जाय, ताचे आयकूक जाय आनी नेम पाळूंक जाय.
२. आमी आमच्या पालकांचेर, व्हडल्यांचेर आनी शिक्षकांचेर मोग करूक जाय आनी तांकां मान दिवक जाय.
३. गरजेंत आशिल्ल्यांक आदार करूंक जाय.
४. सदाच आमचें कर्तव्य करूंक जाय. विध्यार्थी म्हूण शिकप हें आमचें कर्तव्य.
५. शाळेंत आमी शिक्षक आनी विध्यार्थ्यां वांगडा एकवटान काम करूक जाय.
६. आमची कूड आनी वस्तू निवळ दवरूंक जाय.
७. जनावरा आनी सवण्याकडेन बरी वागूंक जाय.
८. गरीब, दुबळे आनी अपगूळांक आदार करूक जाय.

काय गजाली ज्यो आमी करूंक फावना.

१. आमी पालक, शिक्षक आनी इश्टाक दुखोवक फावना.
२. आमी चोरूक फावना.
३. दुसऱ्याचे वायट चिंतूक फावना.
४. परिक्षेंत फटोवक फावना.
५. दुसऱ्याक नागोवक फावना.
६. गर्विश्ट जावक फावना.
७. आमी फट उलोवचे न्हय.
८. आमी झगडी करचीं न्हय.
९. वायट मनशा कडेन इश्टागत करची न्हय.

चूक मागपाखातीर मागणें

मोगाळ देवा, हांव तूजें माणकूलें भूरगें.
हांव जाणां तूं म्हजो खूब मोग करता.
हावें एक बऱ्या भूरग्या वरीं तुजे इत्से प्रमाणे वागिल्ले तूकां जाय.
पूण केन्नाय, हाव तूका जाय तशे करपाक चूकता.
म्हज्या सगळ्या चुकां खातीर म्हाका माफ कर.
म्हजेर केल्ल्या उपकारांवीशी हावें केन्नाच तुजी तुस्त केली ना.
तुजे उपकार मानूक ना देखून हाव तुजी माफी मागतां.
म्हज्या वेळाचो हावें बरे भशेन उपेग केलो ना.
हाव म्हजो पाठ बरेभशेन शिकलो ना.
हावे म्हजे काम वेळार केलें ना.
म्हज्या इश्टांकडे कठोर वागलो देखून म्हाका माफ कर.
तांकां म्हजी गरज आसली तेन्ना हावें तांका आदार केलो ना.
काय वेळार हाव तांच्याविशी वायट उलयलो.
हावें तांच्याविशी वायट चिंतले.
स्वताची काळजी घेवंक ना देखून म्हाका माफ कर.
म्हजे कडेन जावपी कामां लेगीत दुसऱ्यांनी केल्ली म्हाका जाय आसली.
ती करपा खातीर हावें म्हज्या हाता पायांचो वापर केलो ना.
म्हजे कडेन जावपी बऱ्या गजाली हावें केल्यो ना.
देवा, हांव जाणा, तू नम्र आसा आनी तूं तूज्या भूरग्यांक माफ करता.
हावें केल्ल्यो चुको परत जावच्यो ना हाची हांव जतनाय घेतलो.

आमकां रचपाचें कारण

देव जें किदे करता ताच्या फाटल्यान कारण आसताच. ताचो हेतू समजूपा खातीर आमका ताचें आयकूंक जाय. तांची इत्सा स्विकार करून ते भशेन वागले जाल्यार आमी देवाची येवजण पुराय करतात. एका मेकांचो मोग करपाक, ताकां मान दिवन, तांची सेवा करपा खातीर देवान आमकां रचल्यात. आमी एका मेकाचेर मोग करप ही देवाची इच्छा आसा.

कमलेश नांवाचो एक दादलो आशिल्लो. तो सद्दां सकाळचो देवळांत वतालो. खूब वेळ देवालागीं मागणें करतालो. देवाक जायत्यो वस्तू ओपतालो. साजेच्या वेळार कमलेश सद्दा सोरो पितालो. सोऱ्याच्या नेटान तो आपल्या बायलेभूरग्याक मारतालो.

एक दीस एक साधू ताच्या गावांत आयलो. तो कमलेशाच्या घरा गेलो. ताणे कमलेशाक सागले देव ताचेर नाखूश आसा. ताणे दिल्ल्यो वस्तू वा ताचे मागणें देवाक मानवूक ना. कमलेशान आपल्या बायलभूरग्याविर्शी मायेस्त तसोच दयाळू जाल्लो देवाक जाय. तशें जाल्यारूच देव ताचे मागणे आयकतलो आनी ताणी दिल्ल्यो भेटी स्विकार करतलो.

आवय बापूय, शिक्षक वा हेर जे कोण आमची जतनाय घेता ताची आज्ञा पाळप म्हटल्यारूच देवाची आज्ञा पाळप. आमचे आवयबापूय आमचे खातीर देवासमान. आमच्या बऱ्या वायटाची ताका जाणीव आसा. ताची आज्ञा पाळ्ळयार देव आमचेर खूश जातलो.

मनशाचो मोग केल्याशिवाय आमी देवाचो मोग करपाक शकना. जर आमी देवाचेर मोग करता जाल्यार आमी सगळ्याचेर मोग करपाक जाय, मार्गीर तो कोणूय जाव आनी कसोय दिसल्यार जाता. गरीब, कूड्डो, अशक्त, दूर्बळ वा जाण्ट्याचेर मोग करपी एक बरो मनीस आसता. देवान ताकाय रचल्यात.

गरजूची, गरिबाची आनी अशक्ताची सेवा करप म्हटल्यारूच देवाची सेवा करप. आमका रचल्या तेच भाशेन देवान ताकाय रचल्यात. ताका उणाक

लेखून तांचेकडेन कृरतायेन वागपाक जायना, वा तांकां पयसावंक जायना. अशें करता तेन्ना आमी देवाकूच उणाक लेखता. ल्हानल्हान गजालिनी तांची मद्द करपाक शकता. कूड्ड्यांक रस्त्या पलतडी पावोवंक शकता, गरिबांक पैशे, जेवण वा कपडे दिवपाक शकता. दूयेंत आशिल्ल्यां लागी उलोवंक शकता.

भोवतणच्या लोकांचो मोग करून तांची सेवा करून आमी आमच्या निर्मात्या प्रती आशिल्ले आमचें कर्तव्य पूराय करूंक शकतली.

दयेतल्यान दया

दयाळू आसप म्हळ्यार दुसऱ्यांचो मोग करप आनी तांका खोशी जावपाक आदार करप. जायतें फावटीं हेरां कडेन निबर वागून, आमचे स्वार्थी आनी निश्ठुरपणान आमी दुसऱ्याक दुखयतात. हाचें तांकां दुख भोगता. दयाळू जावन आमी तांकां आदार करपाक जाय. तांकां दुखोवपी उतरां आमी वापरूक जायना वा अशें कांयच काम करपाक जायना.

दुसऱ्याकडे आमी जायते तरेन दयाळू रावूक शकता. घराकडे, शाळेंत तशेंच सगळेंच कडेन दयाळूपणान वागपाक जाय. घराकडे आवय बापूय आनी भाव भयणींकडेन मानान वागपाक जाय.

शाळेंत शिक्षकाकडेन तशेंच इश्टांकडे विनम्रपणान वागपाक जाय. ताका मानान वागोवपाक जाय.

गरीब, जाण्टे तशेंच दुर्बळा लागीं दयाळूपणान वागपाक जाय. जनावराची जतनाय घेवक जाय. देव आमचे लागीं दयाळूपणान वागता आनी आमीय दुसऱ्याकडे तशीच वागिल्ली देवाक जाय. दुसऱ्यानी आमका दयाळूपणान वागोवचे अशें आमका दिसता जाल्यार आमी ताका तशीच वागोवपाक जाय.

डेवीड ह्या मनश्याची कर्णी तुमका सांगता. तो बिहारांत एका ल्हान गावांत रावतालो. १९७३ वर्सा ताच्या गावांत खूब डाकू आयले. एक दीस हे डाकू शस्त्रां घेवन ताच्या गावांत भोंवताले. इतल्यान अचानक पुलिसाचे दळ थयसर पावले. ताच्या येवपाची गजाल आयकून, डाकवानी पळ काडली. पुलीस कुर आमतात अशें गावच्या लोकानी आयकलें. ते भियेले आनी तेवूय पळून गेले. फक्त डेवीडाचो घराबो गावांत उरलो. जंगलांत वचप ताका शक्य नासलें कारण ताचे बायलेक एक भुरगें जाल्लें.

पुलीस आनी डाकवाच्या गोळिबारांत थोड्या लोकांक दुखापत जाली. ताचे मदीं एक इन्स्पेक्टर आसलो जाका दुखापत जाल्ली. पुलीसानी सगळ्यांक

डेविडाल्या घरा हाडले. डेवीडान तांची बरेतरेन सेवा केली. रगत व्हावता हे खबर आसून लेगीत इन्स्पेक्टराक स्वताच्या हांथरूणार न्हिदयलो. आपलेकडेन जाता तितलो आदार ताणे तांकां केलो.

इतलेच न्हंय तर काय डाकू जे दुखावल्ले तांकांय ताणी मद्द केली. तांकां धूवन, वखद लांवन तांचेर पट्टी बांदली.

पुलीसांक डेवीडाचो राग आयलो. तो डाकवांचो इश्ट आसतलो आशें तांकां दिसले. तांणी ताका खूब मारलो आनी ताका जितोच मारपाचें चितूंक लागले. पूण इन्स्पेक्टरान तांकां हांथरूणावयरसून हुकूम सोडलो ताचेर गूळी मारीनाका. तो डाकू न्हंय. ताणी आमची जतनाय घेतल्या. तूमी ताका मारीत जाल्यार, हांव तुमकां मारतलो.

अशे तरेन डेवीडाचो जीव वाटावलो. उपरांत इन्स्पेक्टरान ताच्या अधिकाऱ्यांक सांगले हावें ताचो जीव वाचोवपाचें कारण तो सगळ्यां लागीं दयाळूपणान वागलो. इतलो दयाळू मनीस वायट आसपाक शकना.

सदांच दयाळूपणान वागप सोपें न्हंय. काय वेळार हाचो आमकां त्रास जाता, पूण, ताचें फळ मात आमी दाखयल्ले दये परसूय व्हड आसता.

क्षमा करप

जायत्या वेळार आमी दुसऱ्यां कडेन निश्ठूर पणान वागतात. तांच्या बद्दल वायट चिंतात, वायट उलयता, तांचेर हासतात आनी ताचीं फकाणां करतात. अशें करुन आमी तांकां दुखयता. जें आमी दुसऱ्यांक करतात तेंच तीं आमकाय करुक शकतात. जे लोक अशें करतात तांकां जर आमी माफ केले जाल्यार तीं बदलपाक शकता आनी आमची बरी इश्ट जावंक शकता. माफ करप म्हळ्यार देवा भशेनूच दुसऱ्यान केल्ली चूक विसरप. माफ करप म्हळ्यार ताणें तुकां दुखोवन सुध्दा तुवें ताचो मोग करप.

एक दीस स्वामी विवेकानंद रेल्वे गाडयेंतल्यान भोंवडी करताले. तांच्या डब्यान काय ब्रिटीश शिपायी बशिल्ले. ते इंग्लीश उलयताले. तांका दिसले स्वामी अडाणी आनी ताका इंग्लीश कळाना. स्वामी सारख्या सन्याशिची ते फकाणां मारपाक लागले. जेन्ना स्टेशनाचेर स्वामी देवलो तेन्ना तो रेल्वे अधिकाऱ्यांशी इंग्लिशींतल्यान उलयलो. हें पळोवन ब्रिटीश शिपायानी तांकां विचारले, जेन्ना आमी सन्याशाची फकाणा करताले, तेन्ना तुकां राग किद्याक आयलो ना? स्वामीन जाप दिली तुमच्या सारके मूर्ख हावें पयले फावट पळोवंक ना.

स्वानमी विवेकानंद त्या शिपाया कडेन झगडुक ना, ताणी तांकां माफ केले. स्वामिचीं वागणून पळोवन सैनिकाक ते महान आसपाची जाणीव जाली. आमी आमच्या चुकाची क्षमा मागल्यार देव आमका माफ करपाक सदाच तयार आसता. चुकल्यार देव आमका सोडिना, चुकल्यार लेगीत तो आमचो मोग करता. केल्ले चुकीचो आमकां पच्यातापा जाल्यार देव खोशी जाता. दुसऱ्यान आमका किदेय वायट केले जाल्यार आमी ताका माफ करपाक जाय.

आमी सगळीच केन्ना ना केन्ना चुकतात. दुसऱ्याक माफ केल्यारूच देव आमका माफ करता. क्षमा केल्यार आमची तकली शात जाता आनी राग आनी दुस्वास मनातल्यान पयसावता. आमचीं फकाणा करतल्याक आनी आमका दुखयतल्या आमी माफ करपाक जाय. आमचे बद्दल वायट उलयतल्याक आमी

माफ करपाक जाय. आपली चूक कळून कोणीय माफी मागली जाल्यार ताका माफ करपाक जाय. केल्ले चुकीक लागून कोणूय दुखावल्यार आमी रोखडीच क्षमा मागपाक जाय. देव आमचे कडल्यान हीच अपेक्षा दवरता.

दान होच धर्म

आमचे कडेन जें आसा तें दुसऱ्यां लागीं वांटल्यार आमकां खोस भोगना. अशें केल्यार एका मेकाविशीं ओड निर्माण जाता. वाटप म्हळ्यार एका मेकाविशीं आशिल्लया मोगाचें आनी जतनायेचें प्रतीक.

पृथा नावाची एक चली आशिल्ली. आपल्या आवयबापायवांगडा तें शारात रावतालें. गिमाचे सुटयेंत पृथा काय दिसां खातीर आपलें मावशेंगर रावपाक गेलें. शारा सावन बऱ्याच पयस आशिल्लया गावात तार्ची मावशी आपल्या घोव आनी भुरग्यावागडा रावतालीं.

शारातल्यान जें हाडिल्लें तें सगळें पृथान तांच्या वागडा वाटलें. आपलीं खेळणीं मावशेच्या भुरग्यावागडा वाटलीं. तांणीं ताका नवेनवे खेळ खेळपाक शिकयलें, तीं वागडाच भोवपाक वतालीं. शारातल्यो आनी आपल्या घरातल्यो गजालीं सागून पृथा ताच्या वांगडा आपलो वेळ सारतालें. ताका ताच्या कामात आदार करतालें. तीं सगळीं खूब खोशी आसलीं.

पृथाची सुटी सोपल्या उपरात पृथा घरा वचपाक भायर सरलें तेन्ना तीं खूब दुखी जालीं. फुडलें सुटयेंत परत येवपाचें उतर दिवन पृथा भायर सरलें.

आमी आमच्यो वस्तू घरच्या कडेन वांटून पृथा सारकी जावक शकतात. आमचीं खेळणीं आनी हेर खावपाच्यो खाणा भावभयणाकडेन वाटपाक जाय. दिसान दीस जें घडटा तें सांगपाक जाय, आपल्या मनातल्यो गजालीं घरच्याक सागून आपलीं खोशी घरच्या वागडा वाटपाक जाय, घरची सागतान तें आयकूक जाय. ताचें खातीर देवा कडेन प्रार्थना आनी मागणें करूक जाय. ताच्या सुखादुखात वाटेकार जावक जाय.

आपलीं चिंतना ताच्या मुखार माडून ताचें मत घेवक जाय. गरज आसा थय आपलें मत मांडपाक जाय. काणयो सागून आनी अभ्यास घेवन आमचें गिन्यान व्हान भुरग्याकडे वाटपाक जाय.

दयाळू जावन, नम्र जावन, आनी दुसऱ्यांची बरे तरेन जतनाय घेवन आमचो मोग तांच्या वांगडा वांटपाक जाय. काणणयो सांगून, पंदा म्हणून, वांगडा मागणें, प्रर्थना करून आमचो वेळ सारपाक जाय.

देव, आमच्या वांगडा जायत्यो वस्ती वाट्टा. आमचे कडेन जें आसा तें सगळें ताणेच आमकां दिलां. आमी तें दुसऱ्यां वांगडा वांटतात तेन्ना देवान दिल्लेच आमी तांकां दितात हें मतीन दवरुन वांटपाक जाय.

प्रामाणीकपण

सदांच प्रामाणीकपणान वागप सोंपे न्हंय. प्रामाणीक आसप म्हळ्यार सदाच खरेपणान वागप.

एका रस्त्या कुशीकचे पांय वाटेर एक गरीब रावतालो. वाटे वयल्यान येता वयतल्यां कडेन भीक मागून आपलें पोट भरतालो. एक सज्जन मनीस ताका सदाच ५० पैशे दितालो. एक दीस बोवाळान ताणे आपल्या बोलसात हात घालून एक शिक्को काडून भिकाऱ्याक दिलो. शिक्को दिताना ताणे पळयले ना. ताणे चुकून भिकाऱ्याक ५ रूपयांचो शिक्को दिल्लो.

भिकाऱ्यान ५ रूपयाचो शिक्को घेतलो आनी ताका बारीकसाणेन पळयलो. चुकून घडला हें ताच्या लक्षात आयलें. त्या मनशान ताका चुकून ५ रूपयाचो शिक्को दिला हें ताका जाणवलें. तो शिक्को घेवन त्या मनशा फाटल्यान धावलो, ताच्या म्हऱ्यात पावतकूच ताणे म्हळे सायब, तूवे ५० पैशे समजून, चुकून म्हाका ५ रूपयाचो शिक्को दिला. उपकार करून परत घेयात.

त्या मनशाक भिकाऱ्याचें प्रामाणीकपण आवडले. ताणे ते पैशे परत घेतले ना पूण ताका आनीक ५ रूपया दिले आनी म्हळे, हे घे आनीक ५ रूपया. हें तूज्या प्रामाणीकपणाचें बक्षीस.

प्रामाणीकपणाचें फळ आमका मेळटाच. आमी सदाच प्रामाणीक आसपाक जाय. काय वेळार आमका भय दिसता, आमची चूक स्विकारपाक लज दिसता. केल्ली चूक खबर आमूनूय आमी जायते फावट ओगीच रावतात.

रफीक चवथेत शिकतालो. एक दीस मध्यन्तरा वेळार तो हेर भूरग्या वागडा खेळपाक गेलो ना. तो वगांतूच बसून रावलो. तो बाकार चडून एका बाका वयल्यान दूसऱ्या बाकार उडक्यो मारपाक लागलो. अशे करतना एक बाक निसरलो आनी जमनी पडून ताचो एक पाय मोडलो.

रफीकाक दुखापत जावक नासली. ताका कोणेंच पळोवक नाशिल्लो. ताणें

ओगीच मैदानार वचून हेरा वांगडा खेळपाचे चिंतले. पूण अशें करच्या बदला तो मास्तरा कडेन गेलो. ताणे म्हळे, सर, म्हाकां माफ कर. म्हजे कडेन बांक मोडलो. हांव परत अशें करचो ना. मास्तर ताचेर खोशी जालो. ताणे रफीकाक सांगले, तुज्या प्रामाणीक पणाक लागून ह्या वेळार हांव तुका ख्यास्त दिना. परत अशे करू नाका.

प्रामाणीक भुरगो सदाच खोशी आसता, कारण ताच्या मनान कसलीच भिरांत वा अपराधिपणाची भावना आसना.

प्रामाणीक रावल्यार तुमी सदांच खोशी आसतले.

कृतज्ञताय

कृतज्ञ आसप म्हळ्यार जें आमकां दुसऱ्यां कडल्यान मेळटा ताच्या बद्दल उपकार मानप. जर आमी दुसऱ्यांचे उपकार मानले जाल्यार ताकां खोशी जाता आनी दुसरे फावट आमची आदार करपाक ते तयार आसता. उपकार मानप म्हळ्यार दुसऱ्यांनी आदार केल्या बद्दल खोशी उक्तावप. जर आमी दुसऱ्याविशी कृतज्ञताय दाखयली ना जाल्यार ताकां आमकां परत आदार करची अशें दिसचें ना. आमी अन उपकारी मनीस अशें तांकां दिसू येता. नम ळायेन आनी खरेपणान वागल्यार आमी आमची कृतज्ञताय दाखोवक शकता. तार्णी केल्लया उपकारांचो आमी योग्य तरेन उपेग करपाक जाय.

करण एक १४ वर्सांचो भुरगो. तो खूब ल्हान आसतनाच ताचो बापूय भायर पडलो. ताचे आवयक परत लग्न जावपाचें आसलें. देखून ती ताका आनी ताच्या दोन भयणींक सोडुन गेली. जगपा खातीर करण आनी ताच्या भयणींक खूब कश्ट करचे पडटाले.

करणाचें घर रस्त्या कुशीक आशिल्ले. एक दीस रस्त्यार एक व्हडली गाडी बंद पडली. ते गाडयेत एक गिरेस्त दादलो आपले घरकान्नीक होस्पिटलात व्यरपाक भायर सरिल्लो. ताजी घरकान्न दुयेत आशिल्ली. गिरेस्त मनीस गाडयेतल्यान भायर सरुन लोकाक आपल्याक आदार करपाक उलो मारपाक लागलो. ताच्या उल्याकडेन लोकानी दुर्लक्ष केलें. ताचो आवाज आयकून करण थय आयलो. गिरेस्ताची खबर आयकून करणान ताका धीर दिलो. रोखडोच येता म्हण सागून करण धावत सुटलो. करणाच्या घरा सावन हास्पिटल पाच किलोमीटर अंतरार आशिल्ले. करणान धावत वचून होस्पिटलात कळोवन ताची गाडी घेवन आयलो आनी गिरेस्ताच्या घरकान्नीचो जीव वाटयलो.

गिरेस्तान करणाचे उपकार मानले. काय म्हयन्या उपरान गिरेस्त आनी ताजी बायल करणाल्या घरा आयली. ताची वायट परिस्थिती पळोवन गिरेस्तान ताका आपल्या घरा व्हेली. गिरेस्ताक एक ल्हान चलो आशिल्लो, ताणे करण

आनी ताच्या दोनूय भयणींचेर आपल्या भुरग्याचेर करता तिलोच मोग केलो. तांकां शाळेंत घातली. बरे कपडे दिले, पुस्तकां, देळणीं दिली.

आपल्याक मद्द केल्या बद्दल करण गिरेस्ताचे उपकार मानता. व्हड जातकीर एका मेकाक आदार करतलें ह्या उद्देशान तें मन लावन शिकता.

आमी सदांच देवाचे आनी आमकां आदार करतल्यांचे उपकारी आसपाक जाय. आमकां जें मेळ्ळा ताचे खातीर आमी सदांच एकामेकाचो मोग करून आनी बरी कामा करून आमची कृतज्ञताय दाखोवंक शकता.

आमचे आवयबापूय, आजोआजी, काकाकाकी आमचो सदाच मोग करतात आनी आमची जतनाय घेतात. तांची आज्ञा पाळून आनी तांचेर मोग करून आमी तांचेविशी आशिल्ली कृतज्ञताय दाखोवंक शकता.

आमचे शिक्षक आमकां वर्गांत शिकयतात. तांच्या शिवाय हेर लोकूय आमच्या शाळेंत आमकां जायते तरेन आदार करतात. आमी सदांच तांचे उपकार मानून तांका मान दिवंक जाय. ते सांगता तें आमी आयकूंक जाय.

शाळेंत आमचे इश्ट आनी घरा घरचीं आमकां खूश दवरपाक मद्द करता. तांच्या विशी आमी सदाच कृतज्ञ आसपाक जाय. आमी तांचो मोग करपाक जाय. आमी 'देव बरें करूं', 'उपकार करून' आनी 'माफ कर' ह्या उतरांचोय वापर करपाक जाय.

स्वताची जतनाय घेवप

स्वताची जतनाय घेवपाक हावे शिकपाक जाय. म्हजी कामा करपा खातीर हावे दुसऱ्याचेर पातयेवन रावपाक जायना. जे दुसऱ्याचेर पातयेवन रावता ते आळशी आसता. एक बरो आनी जबाबदार भुरगो जातलो जाल्यार म्हजे कडेन जावपी कामा हावे स्वताच करपाक जाय.

ही कांय कामा हांव स्वताच करपाक शकता.

हाव सदाच म्हजे दात धुवन नितळ दवरतां.

म्हजे हाथरूण हावूच काडटा.

हाव म्हज्यो वस्तू वेवस्थीत दवरता.

म्हजे केस उगोवन वेवस्थीत दवरता.

हांव सदा न्हातां.

जेवणा पयली आनी खेळून आयल्या उपरात हाव म्हजे हात धुतां.

हाव म्हज्या नाखटातलो चिखल काडटा.

म्हजे दोळे, कान, नाक आनी तोंडाची हाव खूब काळजी घेता.

न्हाणयेतल्यान येतकूच हाव म्हजे हाथ साबणान धुता.

निद्रूक वचन्या पयली हाव म्हजे पाय धुता.

म्हज्या शरिराचो बरे तरेन उपंग करप हे म्हजे कर्तव्य आसा.

संवाद

आकाश : तू केव्हा उठता ?

रेणू : हाव सद सकाळी ६:०० वराचेर उठता.

आकाश : वेळ जाल्यार म्हजी आवय म्हाका उठयता.

रेणू : हांव उशीरा उठोन म्हज्या आवयबापायक त्रास दिना.

आकाश : हांव सद्द शाळेक वेळार वचपाचो प्रयत्न करतां.

रेणू : हांव म्हजो अभ्यास सदाच करतां.

आकाश : जा ण्ट्यांक, आवयबापायक आनी शिक्षकांक हांव मान दितां.

रेणू : हांव सगळ्यांकडे नम्रतायेन वागतां.

आकाश : दुयेंत पडचो न्ही देखून हाव हळशीकेन खेळना.

रेणू : घटमूट उरपा खातीर हांव बरेतरेन जेवता.

आकाश : म्हज्या ल्हान सुण्या वांगडा हांव भोंवडेक वता.

रेणू : अभ्यास पुराय केल्या शिवाय हांव टि.व्ही पळयना.

मेकळो वेळ

मेकळो वेळ म्हळ्यार जेन्ना आमचेकडेन काम आनी अभ्यास सोंपल्या उपरांत उरता तो वेळ. ह्या वेळार आमकां आवडटा तें करपाक आमकां मेकळीक आसता. मजा करून, विसव घेवन आमी मेकळ्या वेळाचो बरे तरेन उपेग करपाक जाय.

मेकळ्या वेळार आमी आमच्या आवडिची कामां करपाक शकता. आवय बापाय वांगडा उलोवन, भावभयण आनी इश्टा वांगडा खेळून हो वेळ आमी सारपाक जाय.

पुस्तकां वाचून, फुलांची जतनाय घेवन, पदां आयकून, सिनेमा पळोवन, चित्रा काडून, नवे खेळ खेळून, नाच शिकून वेळ सारपाक शकता.

दुसऱ्यांक आदार करून आमचो मेकळो वेळ आमी सारपाक शकता. दुसऱ्यांक आदार करून तांचे बरें करपाक शकता. अश्या कामाची एक बरी देख म्हळ्यार अभयानन. तो बीहारांतलो आय.पि.एस अधिकारी. आय.आय.टींत प्रवेश मेळोवंक सोदतल्या भुरग्यांक तो आदार करूंक सोदता. आपल्या रित्या वेळांत तो गरीब विध्यार्थ्यांक भौतिकशास्त्र शिकयता. ताचे वांगडी आनंद आनी नीरज गणीत आनी रसायन शास्त्र शिकयता.

सुरेश, वीटे करपी कामगाराचो चलो आनी आशिश ह्या दक्षिण चंपारन खेड्यांतल्या भुरग्यांनी ह्या तीन खासगी शिक्षकांचो आदार घेतला. बिहारांतले २६ गरीब भुरगे आवयबा पायच्या खर्चा शिवाय आय.आय.टी परीक्षेंत पास जाले. १६ जून २००५ वर्सा टायम ऑफ इंडीया कडे उलयतना अभयानंदान सांगले म्हाका गरीब भुरग्यांकडल्यान कायच पयशे नाका. तांचे यश म्हळ्यारूच म्हजे खातीर सगळे आसा.

अशे काय लोक आसा जे खूब कठीण परीस्थितींतल्यान वयता आनी दुखी आसा. आमी तांचोय विचार करपाक जाय, थोडो वेळ तांकां मदत करून, तांचे लागी उलोवंक जाय. काणयो, हासयांळी सांगून आनी तांच्या वांगडा

खेळून तांकां आमचो सांगात दिल्यार आमी तांकां खोशी दवरूंक शकता.

देवान आमचे पासत केल्ल्या बऱ्या कामां खातीर आमी सदाच देवाचे उपकार मानूंक जाय.

संवाद

अमन : म्हाका शेनवारची शाळा आसना.

सौरव : म्हाका दर वर्सा गिमाच्या दिसानी सुटी पडटा.

अमन : खेळपाक वयच्या पयली हांव म्हजें काम पुराय करपाचो प्रयत्न करता.

सौरव : सुटयेंत हांव खूब मजा करता.

अमन : शेनवार आयतार हांव म्हज्या भावभयणी वांगडा खेळटां.

सौरव : म्हाका काणयो वाचपाक आनी क्रिकेट खेळूंक आवडटा.

अमन : म्हाकाय क्रिकेट खेळूंक आवडटा. म्हाका कार्टून पळोवपाचीय आवड आसा.

सौरव : केन्नाकेन्ना म्हाका म्हजे आवयवांगडा सिनेमा पळोवपाक आवडटा.

अमन : गेल्या वर्सा गिमाच्या सुटयेंत हांव खासा शिबिरांत गेल्लो.

सौरव : हावेनूय असल्या शिबिरांत भाग घेतला.

अमन : वेग वेगळ्या जाग्यांक भेटी दिवपाकूय खूब मजा येता.

म्हजो शेजारी कोण

एका गांवांत राजू नांवाचो सज्जन आसलो. तो आनी ताची बायल लीला ल्हानश्या खोपटेंत रावताली. राजू आनी लीला खूब कश्ट करताली. तांच्या शेतांत तीं जायतें पीक काडटालीं. दर वर्सा तांच्या शेतांत गरजे परसूय चड धान्य पिकतालें. आपल्या शेतांत धान्य पिकूंकना जाल्यार लोक तांगेर धान्य मागपाक वयताले. राजू आनी लीला तांचे कडेन नमळायेन वागताली. धान्य दिवपाक तीं केन्नाच न्हंयकार दिनाशिल्ली.

वर्सां वचत आसली. राजू आनी लीला आता जाण्टी जाल्ली. तांचे कडेन पयली भशेन कश्ट करपाक जायनासले. दोन वेळचें जेवण मेळप सुध्दा तांकां कठीन जाताले. एक दीस राजू दुयेंत पडलो. ताची बायल ताची खूब जतनाय घेताली, पूण ताचे भलायकेन कांयच सुधारणां जाली ना. तांणी जमयल्ले सगळे पयशे आता सोंपिल्ले. लीला गांवांतल्या घरा घरांनी वचून भीक मागताली. पूण सगळ्यांनीच तांचे कडेन फाट केल्ली. राजू आनी लीलाचें दानशूरपण आनी दयाळूपण तीं विसरिल्ली.

लिलाक कोणाचोच आदार ना हें तांच्या गांवांत भेट दिल्ल्या एका तरणाट्याच्या लक्षांत आयले. ताणे लिलाच्या घोवाची भेट घेतली. ताचे खातीर जेवण आनी वखदां व्हेली. राजू घटमूट जावन परत काम करूंक लागसर तो तांच्याच वांगडा रावपाक लागलो.

जेन्ना राजू लोकांक आदार करतालो तो मेरेनूच लोकांनी तांचेर मोग केलो. पूण जेन्ना ताका तांची गरज आशिल्ली त्या वेळार ताका कोणेच आदार केलो ना. जांकां आमची गरज आसता तो आमचो शेजारी पूण ताणी आमच्योय गरजो समजून आमकां आदार करपाक जाय.

देवाचेर मोग करतलो जाल्यार जांकां आमची गरज आसा तांचेर मोग करपाक जाय. त्या तरणाट्यान अशेंच केले. हे तरेन आमी देवाविशी आशिल्लो आमचो मोग उक्तायता.

सामान्य शिस्त

आमच्यो वस्तू वेवस्थीत दवरून वेवस्थीत रावप ही एक बरी सवयं. आपल्यो वस्ती जाग्यार दवरप म्हळ्यार वेवस्थीतपण. आमचे कडेन आशिल्ली दर एक वस्त दवरपाक एक जागो आसपाक जाय.

रांदचे कुडींत खंयची वस्त खंय आसा हें आवयक बेस बरें खबर आसता. काम करचे सुवातेर खंयच्यो वस्तू खंय आसा हें बापायक बरे तरेन खबर आसता. तेच भशेन आमी आमचें दप्तर, पुस्तकां, कपडे, बूट, फणी, ब्रश, खेळणी, ठरमास आनी हेर वस्तू जाग्यार दवरपाक जाय. जर आमी आमच्यो वस्तू जाग्यार दवरी ना जाल्यार गरजेच्या वेळार त्यो सोदप कठीण जाता. त्यो सोदपांत आमचो बरोच वेळ पिड्ड्यार जाता.

नाका आशिल्लो कोयर उडोवपाक घरांत कोयराचें आयदन आसप सदाच बरें. वापरी नाशिल्ले कपडे आनी बूट एकटाय करून गरिबांक दिवंक जाता. अशे तरेन नाका आशिल्ल्यो वस्तू जाग्यार दवरपाची गरज नाशिल्ल्यान पिड्ड्यार जावपी वेळूय वाचता.

वेवस्थीत रावल्यार आमकां बरी शिस्त लागता. आयजूच जावपाचें काम आमी मुखार धुकलपाक फावना. आमची कामां आमी वेळार पूराय करपाक जाय. महत्वाचीं कामां पयली सोपोवंक जाय. आमची कूड आनी घर नितळ आनी सुंदर दिसपाक जाय.

धावेच्या वर्गांत सलीम नांवाचो चलो शिकतालो. तो खूब हुशार आशिल्लो. शिक्षणांत तो सगळ्यान मुखार आशिल्लो. पूण तो बेशीस्त आसलो. एक दीस ताचे परिक्षे दिसांनी, ताका ताचे परिक्षेचें वळखपत्र मेळना जाले. आदल्या दिसाची प्रश्नपत्रीका बरोवन आयल्या उपरांत ताणे आपले परीक्षेचें वळखपत्र जाग्यार दवरूंक नाशिल्ले. ताचे अजून दोन विशय उरिल्ले. प्रमाणपत्र खंय दवरलां हेंच तो विसरलो. ताणे सगळे घर सोदून काडले, इश्टां कडेन विचारले पूण ताका तें मेळ्ळे ना.

निमणे, वळखपत्र घेय नासतना तो परिक्षेक गेलो पूण ताका प्रवेश दिवपाक नकार दिलो. सलीम आपले शिक्षीकेकडे गेलो. शिक्षीकेन आपल्या परीन प्रवेश दिवपाक प्रयत्न केलो, पूण कांयच जमले ना. परीक्षेक बसपा खातीर ताका दुसऱ्या वर्साची वाट पळोवची पडली.

जर आमी आमच्यो वस्तू जाग्यार दवरल्यो ना, जाल्यार आमच्याच वांगडा असल्यो गजाली घडपाक शकता. वस्तू सोदपाक आमी जायतो वेळ व्हगडायतां. बेशीस्त आशिल्ल्या मनशां कडेन आपल्यो वस्तू शेणतात. ताचे भोवतणी सगळे बेशिस्त आसता. ताच्या कुडीन काम करपाक आनी भोवपाक लेगीत सारखे मेळना. कूड बुरशी आशिल्ल्यान शिकपाक सारके जमना.

बऱ्या विध्यार्थ्यान आपल्यो वस्तू नितळ आनी वेवस्थीत दवरपाक जाय. अशा नितळ मनशांचेर सगळीच मोग करतात.

वेळाची शिस्त

वेळाची शिस्त म्हळ्यार वेळार येवप. वेळाची शिस्त एक सदगूण. वेळार पावप एक बरी शिस्त तुमी बरे तरेन पाळ्ळ्यार ही वेळाची शिस्त दिसून येता.

वेळाची शिस्त आसल्यार वेळ वाचता. दुसऱ्यांनी आपली वाट पळोवन तांचो वेळ वगडावप एका बऱ्या भुरग्यांक केन्नाच सोब ना. वेळार येवपी मनशाक केन्नाच फट उलोवची गरज पडना. असो मनीस सदाच आपले काम वेळार पुर्ण करपाचो प्रयत्न करता.

केन्नाच वेळार न येवपी मनीस सदाच आळशी आसता. दुसऱ्यांक तो मान दिना. देखून दुसरीय ताका मान दिनात. दुसऱ्यांक ताचेर विश्वास आसना. तो आपलो तशेंच हेरांचोय वेळ वगडायता. अश्या मनशाक केन्नाच यश मेळना.

एक राजा आशिल्लो. ताका दोन सुंदर चलयो आशिल्ल्यो. ताच्या राज्यांतले सगळेच लोक ताच्या धुवांक पळोवपाची संधी केन्नाच चुकय नाशिल्ले. ताच्या राज्यांत सिध्दार्थ नांवाचो एक उदार तरनाटो रावतालो, जो राजाले व्हडले धुवेचेर खूब मोग करतालो. तो तिचे कडेन लग्न जावंक सोदतालो.

एक दीस राजान आपले व्हडले धुवेचें लग्न करपाचें थारायलें. तिचे खातीर घोव वेचून काडपा खातीर एक दीस थरलो. ताणे आपल्या राज्यांतल्या सगळ्या तरणाट्यांक आपल्या दरबारांत आपोवणें धाडलें. राज्याली धुवूय ताचेर मोग करताली ती ताजीच निवड करतली हाची तरणाट्या सिध्दार्थाक पुराय खात्री आशिल्ली. स्वता राणयेक लेगीत तीच इच्छा आशिल्ली.

अखेर तो दीस उजवाडलो. राज्याच्या दरबारांत जायते तरणांटे पाविल्ले पूण सिध्दार्थ मात पावलो ना. तो सदचे भशेनूच उशिरा उठलो आनी अजुनूय दरबारांत वचपाची तयारीच करतालो. राजान सगळ्यांक पळयले पूण ताका कोणूच आवडूंक ना. उपरांत ताका सिध्दार्थाची याद आयली.

राज्यान सगळे कडेन पळयलो पूण ताका तो खंयच दिसलो ना देखून ताणे एका तरणाट्याक वेचून काडून ताच्या हातान आपले धुवेचो हात दिल्या उपरांत सिध्दार्थ थंय पावलो. पूण तो मेरेन खूब वेळ जाल्लो. आपली मोर्गीका आनी कोणाची जाल्ली ताणे पळयले.

जर आमी वेळाचे पालन केले ना जाल्यार आमच्या हातांतल्यान जायत्यो भांगराळ्यो संदी वचपाक शकता. आमची दिसपट्टी कामां आमी वेळार करपाक जाय. शाळेंत वचप, कामांक वचप, मागणें मागप आनी हेर कामां आमी वेळार करपाक जाय. अशे केल्यार आमच्या मनांत जें आसा तें आमी प्राप्त करपाक शकता.

संवाद

पॉली : वेळाची शिस्त यशाकडेन पावपाचो मार्ग.

पिटर : केन्ना केन्ना वेळार पावप कठीन जाता.

पॉली : वेळाचें पालन करून हांव म्हजो खूब वेळ वाटयतां.

पिटर : उठपाक उशीर जावचो न्हय देखून हांव आलार्म लायतां.

पॉली : हांव सदांच वेळार शाळेक वतां.

पिटर : उशीरा पावल्यार हांव म्हजो आनी हेरांचोय वेळ व्हगडायता.

पॉली : हांव केन्नाच दुसऱ्यांक म्हजी वाट पळोवपाक लायना.

पिटर : तुमचेर कितले बरे संस्कार जाल्यात हें तुच्या वेळाची शिस्तींतल्यान दिसून येता.

पॉली : वेळाची शिस्त म्हळ्यार मानाचें प्रतीक.

पिटर : म्हजी वेळाची शिस्त म्हाका एक दीस यश प्राप्त करपाक आदार करतली.

आमी सगळीं देवाची भुरगीं

संवसारांत जायते लोक आसात. दर एकलो दुसऱ्यापरस वेगळो. कांय जाण मोटवे, लांब, काळे, गोरे, गरीब आनी श्रीमंत. लोक तरे तरेंच्यो भासो उलयता, वेग वेगळे धर्म मानतात, तरे तरेचे कपडे घालतात आनी जायत्या भाशेचे जेवण जेवतात.

धतरेर सगळेंच आनी सगळ्यांक देवानूच रचयल्यात. आमी सगळीं ताचीच. तो सगळ्यांचोच मोग करता.

एक मनीस असलो जो बोमाडे विकतालो. ताचे कडेन वेग वेगळ्या रंगाचे बोमाडे आशिल्ले. आपले बोमाडे उंच वच्चे देखून ताणे ताचे भितर विशिश्ट प्रकाराची हवा भरिल्ली.

बोमाडे विकते घेवपा खातीर तो भुरग्यांक आकर्शीत करूंक सोदतालो. भुरग्यांनी आपले कडेन पळोवचें देखून एक एक बोमाडो वाऱ्यांत सोडटालो. बोमाडे ल्हव ल्हव मळबांत वताले.

पयली ताणे तांबडो बोमाडो सोडलो तो मळबांत उंच गेलो. उपरांत ताणे हळदूळो सोडलो. तोवूय मळबांत गेलो. उपरांत पाचवो, धवो आनी हेर.

एक काळो चलो ताका पळयत आशिल्लो. कांय वेळान तो चलो ताचे कडेन गेलो आनी ताणें विचारलें हेर बोमाड्यां भशेन हो काळ्या रंगाचो बोमाडो मळबांत उंच वचपाक शकता ? दादल्यान जाप दिली हय शाण्या, तोवूय वयतलो. बोमाड्यांच्या रंगान कांयच ना पूण ताच्या भितर जें आसा ताका लागून तो वयर वता ल्हान भुरग्याचें समाधान जाल्ले. लोक ताच्या काळ्या रंगाक हासता देखून तो सदांच दुखी आसतालो.

आमचो रंग, कपडें, आकार वा रूपाक महत्व ना. महत्व आसता आमच्या मनांत जें किदे आसा ताका. भितर आमी सगळी सारकीच. आमी सगळी मनशांच. देवानूच आमकां रचल्या आनी आमी ताचीच भुरगीं, आमी सगळी भावभयणां.

भोवतणची नितळसाण

नितळसाण बऱ्या आरोग्या खातीर गरजेची. आमच्या कुडिची तशेंच भोवतणची नितळसाण आमची भलायकी बरी दवरपाक आदार करता. भोवतणचो वाठार नितळ आसल्यार श्वास घेवपाची हवाय शुध्द आसता. आमचें जेवण आनी उदक सदाच नितळ आसपाक जाय. जेवपाची आयदनां सदांच स्वच्छ दवरचीं. आमी सदाच नितळ सुवातेर खावंक जाय.

आमच्या भोवतणचो वाठार नितळ कसो दवरचो?

भोवतणचो वाठार नितळ दवरपा खातीर आमी स्वता कांय बऱ्यो सवंयो आपणावंक जाय.

मेळता थंय कोयर उडोवचो न्हय. कोयर फक्त कोयराच्या आयदनानींच उडोवचो.

मेळत थंय थुकचें न्हय. फक्त न्हाणी वा वोश बेसिनांत थुकचें.

शाळेच्या वा घराच्या वण्टींचेर बरोवचें न्हय. बरोवपा खातीर वा चित्रा काडपा खातीर आपल्या कादेनाचो वापर करचो.

जेवणाचेर मूस वा हेर किटानू बसून दुयेंस पातळचें न्हय देखून जेवण धापून दवरचें.

नाका जाल्ली कागदांप्लास्टीक रस्त्याच्या कुशीक वा बस स्टांपार उडोवचें न्हय. कोयराच्या आयदनांचो वापर करचो.

प्लास्टीक पोतयो वा बाटल्यो मेळत थंय उडोवच्यो न्हय.

घरा लागसर, रस्त्या कुशीच्या आनी शाळेकडल्या झाडांची काळजी घेवची.

झाडांची फुलां तोडून पोरसांतली सोबीनकाय नश्ट करची न्हय.

नळ सारको बंद करचो.

सार्वजनीक प्रसाधन ग्रहान उदक घातल्या शिवाय दवरचें न्हय.

भोवतणचो वाठार नितळ आसल्यार, स्वच्छ जेवण जेवल्यार, शुध्द हवेन श्वास घेतल्यार आनी बरे विचार चिंतल्यार आमचें आरोग्य बरें उरतलें.

संवाद

रूबीना : म्हाका निवळ वाठारांत रावपाक आवडटा.

नलिनी : नितळ वाठार सगळ्यां खातीर गरजेचो.

रूबीना : सार्वजनीक प्रसाधन ग्रहांचो योग्य तरेन वापर करप आमचें कर्तव्य.

नलिनी : अस्वच्छ वातावरण सगळ्यां खातीर हानिकारक आसता.

रूबीना : भोवतणचो वाठार अस्वच्छ आसल्यार आमी दुयेंत पडपाची शक्यता आसता.

नलिनी : दर वर्सा जूनाचे ५ तारखेक संवसारीक सैम दीस मनयतां.

रूबीना : ह्या दिसा आमी आमचें भोवतणचो वाठार नितळ करतात.

नलिनी : ह्या वर्सा हावें म्हज्या घरा लागी १० झाडां रोयल्या.

रूबीना : आनी हावें सायकल यात्रेंत भाग घेतिल्लो.

नलिनी : सद्दा सांजचे हांव झाडांक उदक घालतां.

रूबीना : झाडां हवा शुध्द करतात.

नलिनी : शुध्द हवा आमचें आरोग्य बरें दवरपाक आदार करता.

आप आदार

देवा कडेन आदार मागल्यार तो आमकां सदांच आदार करता. देवा चेर विश्वास दवरून आमी सदांच आमचे दुख्ख ताचे वांगडा वांटपाक जाय. देवा कडेन आदार मागून आमी कश्ट करीत रावपाक जाय. हांगा एक काणी आसा. देवाकडे मदत मागून आमी स्वता जाता ते तरेन प्रयत्न केल्यार देव आमकां आदार करता हें हातूंत बरे तरेन दाखोवन दिला.

रामू, मानस आनी पृथ्वी ल्हानश्या गांवांत रावताले. भाजी पालो रोवन ते शारांत व्हरून विकताले. बाजारांत वचपा खातीर तांकां असूरक्षीत जंगलांतल्यान वचे पडटालें.

एक दीस रामू शारान भाजी विकून घरा परततालो. जंगलांत दोन डाकवांनी ताचेर हल्लो केलो. रामू थंयच दिमी घालून देवाक उलो करपाक लागलो. देवा, म्हाकां मदत कर. देवान रामूक पळयलो पूण ताची मदत केली ना. चोरांनी ताचे सगळे पयशे चोरून व्हेले.

दनपारच्या वेळार त्याच डाकवांनी मानसाचेर हल्लो केलो. देवा म्हाकां मदत कर अशें म्हणून ताणे आपले कडली सुरी काडून डावकां कडेन झगडूंक सुरवात केली.

देवान ताका पळयलो पूण ताची मदत केली ना. मानस घट मूट तसोच भलायकेन बरो आशिल्ल्या कारणान ताणे दोगाय डाकवांक पळोवन घातले.

सांजेच्या वेळार त्याच डाकवांनी पृथ्वीचेरूय हल्लो केलो. देवा म्हाकां मदत कर अशें म्हणत तो आपली सुरी घेवन डाकवां कडेन झुजपाक लागलो. पृथ्वी अशक्त आशिल्लो. चोर ताचे सगळे पयशे घेवन वचपाचेच आशिल्ले पूण देवान तांकां बरेच ताणलें आनी धावंडोवन घातले.

देवा वांगडा आशिल्ल्या आंजेलांक धक्कोच बसलो. एकल्यान देवाक विचारलें, देवा तुवें पृथ्वीक आदार कित्याक केलो, तुजे कडेन तर तिगांनीय मदत

मागिल्ली. देवान जाप दिली जेन्ना कोणांक खऱ्यानीच म्हजी गरज आसता तेन्नाच हांव तांका मदत करता. म्हज्या शिवाय तांकां जैत मेळपाक शकना. हांव आवय भशेन, म्हज्या भुरग्यांक तांकां जाय तें करपाक दिता. पूण तांचे कडेन जेन्ना करपाक जायना त्या वेळार आवय तांकां मदत करता.

हावें रामूक मदत केली ना कारण ताणें फक्त मागणेंच केल्ले स्वताक वाचोवपा खातीर आपणें कांयच केले ना. हावें मानसाक मदत केली ना कारण ताका म्हजी गरज नासली. स्वताक वाचोवपाक ताका शक्य आसलें. हावें पृथ्विची मदत केली कारण ताणे म्हजे कडेन मागले, आनी ताका खऱ्यानीच म्हज्या आदाराची गरज आसली.

स्वताक मदत केल्यारूच देव आमकां मदत करता. स्वता कडेन जावपी कामान देवाचो आदार मागल्यार तें काम आनींक बरे तरेन जावंक शकता. संकश्टाच्या वेळार आमकां देवाचें अस्तित्व दिसून येता. स्वता प्रयत्न केल्या उपरातूंच हेरां कडेन वा देवा कडेन आदार मागपाक जाय. तशें केल्यारूच देव आमकां आदार करतलो.

स्वार्थ

स्वार्थ म्हळ्यार आपले कडेन चड आनीक चड आसपाची इच्छा. आपले कडेन कितलेय आसले जाल्यार लेगीत थोड्या लोकांचे केन्नाच समाधान जायना. चड मेळपा खातीर ते चोरी सुध्दा करपाक शकता. आपल्याक जाय तें मेळना देखून ते सदांच दुख्खी आसता. कांय जाणांक जेवणाची आस आसता तर थोड्यांक पयशांची. अशेय कांय लोक आसा जांकां आपले कडेन दुसऱ्यां परस चड आशिल्ले जाय.

जायते तरणाटे स्वार्थी आसतात. सत्ता, पयशे आनी किर्त मेळची म्हूण जायती झुंजा घडिल्ली आसा. तांचो स्वार्थ जायत्या लोकांचो जीव घेता. आपल्या स्वार्था खातीर जायत्या लोकांचे जिवीत इबाडटात. स्वार्थ एक वायट गजाल जाका लागून सगळेच दुखी आसता. आमचे कडेन जें आसा तातूंन समाधानी आसप सदाच बरें.

मीलना आनी फरीदा दोगांय शेजारी. तीं दोगांय एकाच वर्गांत शिकतालीं. मीलनाक फाटले परिक्षेंत फरीदा कांय कमी गूण मेळिल्ले ताका लागून मिलनाका फरीदा चेर राग आशिल्लो. एक दीस फरीदा आपलें बेग वर्गांत सांडून ग्रंथालयांत गेले. मीलना ही संदी सादून ताच्या बेगांतले दोन कादेन काडले. उपरांत फरीदान ते सगळ्याक सोदले पूण ताका ते मेळ्ळे ना. तांणे सगळ्यां विचारले, जेन्ना ताणे मीलनाक विचारले तेन्ना मीलनान ताका फट मारली. परिक्षा लागी पाविल्लयो दुस्वासाक लागून मीलनान ताका आपले कादेन दिले ना, ताका शिकपाक लेगीक आदार केलो ना. मीलन फरीदाचे कादेन घेवन शिकलें, ताका बरे गूण मेळ्ळे. फरीदाक परिक्षेंत कमी गूण पडले. मीलनाच्या दुस्वास आनी स्वार्थाक लागून फरीदाक त्रास जाले.

मेकळेपणान दियात, मेकळेपणान जगात. जितले चड तूमी दितले, तितलेच चड तुमकां मेळटले. जितले तुमी दितले, तितलेच तुमचे त्रास कमी जातले. जितले चड तुमी दुसऱ्या वांगडा वाटूले, ताचे कांय चड तुमकां देव दितलो.

जितलो मोग तुमी करतले, तितलीच बरी जीण तुमकां दिसतली आनी तितलेच नम्र इश्ट तुमकां मेळटले. जितले आमी दुसऱ्यांक दिता, तितलेच आमी श्रीमंत जाता.

प्रसन्नताय

सदांच हासत आनी खूश रावप ही बरी गजाल. हासत्या लोकावांगडा रावप सगळ्याकूच आवडटा. खूश रावल्यार आमचें दूख आमी विसरूंक शकता. अशे लोक दुसऱ्यांकूय खोस दितात. सदांच दुखी रावपी भूरगीं कोणाकूच आवडना. अश्या भुरग्यांक इश्ट आसना. तीं दुसऱ्यावांगडा झगडत आसतात. तांकां सदांच कसले ना कसले दूख आसताच. अशे लोक सदाच रडटा आनी स्वार्थी आसता. ती दुसऱ्यांकूय दुखी करता.

आमी जरी गरीब वा श्रीमंत, मोटे वा बारीक, काळोगोरो आसल्यार लेगीत काय फरक पडना पूण सदाच हासत रावपाक जाय. आमच्याविशी आनी दुसऱ्यांविशी बरे चिंतपाक आमी शिकपाक जाय. दूख, चिंता, राग, त्रास, अपयश हांचेविशी परतपरत विचार करप योग्य न्हय.

हासपाक पयशे पडना. आमी हासपाक शिकूंक जाय. हासोन आमच्या संवसारान उजवाड हाडपाचो प्रयत्न करूया.

हासप म्हळ्यार सुर्योदय. तें सगळ्याच्या जिणेंत खोशी हाडटा. आमच्या देशाक खुशालभरीत करपाक आमकां हासत्या लोकांची गरज आसा.

देव म्हळ्यार मोग

देव म्हळ्यार मोग, तो सगळ्यांचेर समान मोग करता. देवाक आमी सगळी खूश आनी समाधानी राविल्ली जाय. त्याच खातीर ताणे आमकां गरजेच्यो वस्तू दिल्या.

जेवपा खातीर देवान जेंवण दिलां. बरी भलायकी दिल्या. घालपाक कपडे दिल्या. ज्ञान दिला. मोग करपी आवयबापूय शिक्षक आनी इश्ट दिल्या. ताणें आमकां सुर्य, चंद्र, दोंगर, न्हयो, जनावरां, झाडां आनी फुलां दिल्या. धर्तरि वयल्यो सगळ्यो सुंदरवस्तू देवान आमचे खातीर निर्मिल्या.

देव आमचेर नम्र आसता. तो केन्नाच आमचेर रागार जायना. तो कोणाकूच लुकसाण करी ना. चूक मागल्यार तो सदाच आमकां क्षमा करता.

देव आमकां खोस दिता. आमी दुखी आशिल्ले देवाक आवडना. देवाक आमचें बरें जाल्ले जाय. आमी दुखी आशिल्ली देवाक नाका.

देव आमचेर मोग करता त्या बद्दल आमीय ताचो मोग करपाक जाय. देवाचो मोग करपाचो आसल्यार आमी आमच्या भोवतणच्या लोकांचोय मोग करपाक जाय.

अमित आनी अनील हे दोन इश्ट आशिल्ले. दोगूय देवाचो मोग करताले, पूण वेग वेगळे तरेन. अनील देवाचो आनी भोवतणच्या लोकांचो मोग करतालो. तो गरीबांक आदार करतालो. अमित सदांच देवा कडेन मागणें करतालो, देवळांत भेटी दितालो पूण ताका गरीब आवड नाशिल्ले.

एक दीस देवान ताची परिक्षा घेवपाचें थारायलें. ताणे भिकाऱ्याचें रूप घेवन अनीलाच्या मुखार आयलो. अनीलान ताका जेवण आनी उदक दिले. दुसऱ्या दिसा तो भिकाऱ्याच्या रूपान अमिताच्या फुड्यान आयलो. पूण अमितान ताका कांयच दिनासतना धावडावन घातलो.

देव अनिलाचेर खूश आशिल्लो. ताणे म्हळे अनील हांव तुज्या म्हऱ्यान अयलो तेन्ना तूं म्हजे कडेन नम्रतायेन वागलो. तुकां तूज्या नम्रतायेचें फळ मेळटले. उपरांत ताणे अमिताक म्हळे, तूं म्हजो मोग करी ना. हांव तुजे कडेन आयलो तेन्ना तुवें म्हाका धावडावन घातलो. भोवतणच्या लोकांचो मोग केल्या शिवाय हांव तुकां बक्षीस दिवंक शकना.

आपणे आमचेर केल्लया मोगाच्या बदला आमी भोवतणच्या लोकांचो मोग केल्लो देवाक जाय. नम्रताय, विनीतपण आनी सत्यान वागत जाल्यार आमी देवाविशी मोग दाखोवंक शकता.

संवाद

जावेद : देव आमचो सगळ्यांचो मोग करता.

फरीदा : देखुनूच ताणी आमकां जायत्यो वस्तू दिल्या.

जावेद : धतरिर ताच्या मोगा परस व्हड आनी कांयच ना.

फरीदा : आमी खोशी राविल्ली ताका जाय.

जावेद : आमी दुखी आशिल्ली देवाक आवडना.

फरीदा : तो सदांच आमच्या वांगडा आसता.

जावेद : तो सदांच आमकां सुरक्षीत दवरता.

फरीदा : देव आमकां सदांच बरो रस्तो दाखयता.

जावेद : आमी मागता तें दिवपाक तो सदाच तयार आसता.

फरीदा : चूक केल्यार हांव देवा कडेन चूक मागतां.

जावेद : हांव आवयबापायचो आनी शिक्षकाचो मोग करतां.

फरीदा : ताच्या मोगा खातीर हांव सदा तांचे उपकार मानतां.

देवाक सगळी खबर आसता

देव सगळ्याक आसता. तो सदांच आमच्या मदल्या दर एकल्या कडेन आसता. आमच्या कर्मांची ताका जाणीव आसता. बायबलांतल्या एका कथे प्रमाण देवाक आमी जें कितें करतात ताची जाणीव आसता तशेंच आमच्या कर्मांची खबर आसता अशें सांगलां. आदांव धतरि वयलो पयलो मनीस आनी एव ताची बायल, तांकां दोन चले आशिल्ले. तांचीं नांवां कॅरन आनी एबल. कॅरन शेतकामती आनी एबल राखणो आशिल्लो.

कॅरनान ताचें थोडें पीक देवाक भेटयले. एबलान ताच्या बोकडेचें पयलें पील देवाक ओपलें. देव एबलार प्रसन्न जालो आनी कॅरनान दिल्ली भेंट न्हंयकारली. कॅरन एबलाचो राग आयलो आनी ताणें ताका मारपाचें थारायलें. कॅरनान एबलाक आपल्या शेतांत येवपाक सांगलें. शेतांत कॅरनान ताचो जीव घेतलो. हें कोणांक कळचें न्हंय म्हूण ताणें ताची कूड पुरली. पूण देवान कॅरनाच विचारलें, तुजो भाव एबल खंय आसा ? तुवें तुज्या भावाची अशी वायट गत कित्याक केली?

देवाक कॅरनाच्या वायट कर्तुबाची खबर आशिल्ली. कॅरनाक दिशिल्ले आयली कर्णी कोणांक कळची नां. पूण देवाक मात हें कळ्ळे. जायत्या फावट आमी वायट कर्मा करतात आमकां दिसता आमकां कोणेंच पळोवंक ना वा कोणांक कळचें नां. आमचेर कोणाचीच नदर ना. पूण देवाक आमच्या सगळ्या कर्ण्यांची जाणीव आसता.

एक दीस सीमान शांतीक आपल्या वांगडा शेजान्नीगेर येवपाक सांगलें. शांतीन ताका थंय वचपाचें कारण विचारलें. सीमान म्हळें तांगेर बरें गुलाब फुल्ल्यात, घरकार सुट्टी मनोवपाक भायर गेला आमी या आनी कांय गुलाब काडून हाडूया

सुहेल नांवाच्या एका चल्याक रस्त्या कुशीक आशिल्ल्या खांब्या वयले दिवे फातर मारुन फोडपाक आवडटाले. अशें करतात ताका ताज्या एका इश्टान

आडयलो. ह्या दिव्यांची लोकांक रातीं गरज पडटा तशेंच जर फातरायताना सपडलो जाल्यार ख्यास्त जातली अशें इश्टान सांगलें. सुहेलान म्हळें तूं तर कोणांक सांगना जाल्यार कशें कळटलें?

सरभोवतणी कोण ना तें पळोवन कुकर्मा करपी प्रसंग दाखोवपी ह्यो दोन देखी. कोंण ना तें पळोवन कांय लोक रस्त्यांचेर, वणटींचेर बरयतात, चित्रां कडटात. असलें करप वा चिंतप चुकीचें. देव सगळें पळयता आनी तो सगळें जाणां. आमच्या कर्मां प्रामाण तो आमकां इनांमां दिताच पूण वायट काम केल्यार ख्यास्तूय दिवंक शकता हें मतींत दवरुंक जाय. आमी बरें काम केल्यार जायते फावट तें लोक पळयना पूण देव आमच्यो बऱ्यो कर्ण्यो पळयता आनी ह्याच बऱ्या कर्ण्यां खातीर देव आमकां इनामां दिता.

सत्यशीलताय

सदांच खरें उलोवप सोंपे न्हंय. ताका धाडस जाय पडटा. स्वताची चूक मानून माफी मागप सोंपे न्हय.

हें करपाक निर्भय आसचें पडटा. आमची वाड जावपाक सत्य उलोवपाची गरज आसता. सत्य उलयल्यार लोक आमचेर विश्वास दवरता. एका फट उलयल्यार लोक आमचेर परत विश्वास दवरचे नां.

देवाक आमी सत्यवादी जाल्ले जाय. आमी केल्ल्या चुकिची ख्यास्त आमकां मेळटली हें जाणां आसल्यार लेगीत सत्य उलोवंक जाय. फट आमकां अडचणींत घालता. फट आमकां शांती कायेन आनी समाधानान जगूंक दिना.

किशोर चवथेंत शिकतालो. परिक्षेंत नापास जाला हें जेन्ना ताका कळ्ळे तेन्ना तो दुखी जालो. शिक्षकान जेन्ना परिक्षेचें गूण पत्रक पालकांक दाखोवन ताचेर तांची निशाणी करुन हाडपाक सांगलें तेन्ना तो भियेलो. आपूण अभ्यासा वेळार खेळटालो म्हूण नपास जालां आनी हें बाबक कळ्ळ्यार बाबा आपल्याक ख्यास्त दितलो हें चिंतून तो भियेलो.

घरा वचून ताणे शिक्षकान गूण पत्रक दिवूंक ना म्हूण सांगलें. ताज्या बापायन तें खरें मानलें. शाळेंतल्या शिक्षकांक ताणे आपलो बापूय घरा नां म्हूण सांगलें, शिक्षकानूय ताचें खरें मानलें. गूण पत्रक मेळूंक ना म्हूण कांय दिसांनी किशोराचो बापूय शाळेंत गेलो. शिक्षकाकडेन उलयल्या उपरांत ताका किशोरान दोगांयकूय फट मारल्या हें कळ्ळे. ताका खूब राग आयलो. ताज्या फटीक लागून ताका ख्यास्त भोगची पडली. बापायन जेन्ना गुण पत्रक मागलें तेन्ना किशोरान तें शेणलें म्हूण सांगले. हें बापायन सत मानूंक ना आनी ताजेर आनीक तिडकलो.

दुसऱ्या दिसा एका विद्यार्थ्यान किशोराचें गूण पत्रक शिक्षकाक दिवन आपल्याक तें रस्त्यार पडिल्ले मेळ्ळे म्हूण सांगलें. किशोरान तो उडयल्लो. शिक्षकान किशोराक आफल्या कुडींत आपयलो आनी सांगलें केन्नाच फट उलोवंक जायना, एक फट लिपोवपाक हजार फटी मारच्यो पडटात पूण फट केन्नाच लिपना ती लोकांक कळटाच. लोकांक तूं फटकीरो हें एक फावट कळ्ळे काय लोक तुजेर केन्नच दवरनात.

प्रसन्नताय

प्रसन्न रावपाक आमचे कडेन जें कितें आसा तातूंत खोशी आसपाक जाय. प्रसन्न मनीस आपले कडेन कपडे, खेळणीं, जेवणखाण, पयसो, रंग आनी आकाराचेर पिरंगना. आपले कडेन जें आसा जें ताका मेळटा तातूंत तो समाधानी आसता. जें ताचे कडेन आसा ताचो तो बरो वापर करता. जी जबाबदारी दिल्या ती तो पिरंग नासताना व्हडा प्रसन्नतायेन करता. जो मनीस प्रसन्न आसना तो मनीस सदांच दुखी, रागार आनी खंती आसता.

रेणू एक गरीब चली. ताज्या बापायक तें ल्हान आसतनाच मरण आयलें. ताची आवक दिसावड्याक वचून काम करता. तांकां रावपाक घर ना. तरीय आसतना रेणू सकळफूडे उटून शाळेक वता. शाळेंतल्यान येवन ते सानजेच्या वेळार एका गिरेस्त मनश्यागेर कामांक वता. ह्या कामाक वचून आपल्या आवय आनी घराब्याक आदार दिता. कामांक वचून आयलें कांय रस्त्या कुशीक आशिल्लया दिव्याच्या उजवडाक बसून तें सद्दां तीन वरां अभ्यास करता.

रेणूक आपल्या इश्टां सांगाताक मेळून खेळपाक आवडटा. पूण ताका वेळ मेळना. हेर भुरग्यांक मेळटात तश्यो वस्तू ताका मेळनात. आपल्याक आनी आवयक बरी भलायकी आनी काम करता त्या मालकाचो दयाळू स्वभाव दिल्लया पासत तें देवाचें उपकारी आसा.

२००२ वर्सा अंशुमनाका दोतोरांनी ताका हाडांचो कर्करोग आशिल्लयाचें सांगलें. उपरांत ताजो दावो पांय धोपरा सकय कातरिल्लो. त्याच दिसा ताजो बापूय ज्या कारखान्यांत काम करतालो तो कारखानो बंद पडलो. ह्या वायट प्रसंगांक लागून अंशुमनाच्या घराब्याचेर गरीब परिस्थिती आयली. ह्या सगळ्या अडचणीं मदीं ताणे आपलें शिक्षण बंद केलें ना. तो नेमान शळेक वतालो. आपलो अभ्यास करतालो तशेंच आपल्या इश्टां वांगडा वेळूय सारतालो. ताच्या खर परिश्रमाचें फळ ताका मेळ्ळे शाळेंत ताका बरें गूण मेळ्ळे. ताका यश मेळ्ळे तशेंच ताज्या प्रसन्न वागणूकेन ताणे जायत्या लोकांचें मन जिकलें.

ल्हानपणा सांवन रेणू आनी अंशुमनाक खूब त्रास भोगचे पडले. पूण तांणी केन्नाच कोणांक शिणूक ना, केन्नाच तीं पिरंगूंक ना आपल्या कडेन जें आसा तातूंत तीं समाधानी रावली. शांत स्वभावान कश्ठ करून मुखार वचत रावलीं आनी सगळ्यान महत्वाचें म्हळ्यार ती सादांच प्रसन्न रावताली.

सगळ्यांच्या जिवितान आडमेळी आसतात. आमच्या जिवितान आमी जे त्रास भोगतात ते आमकां सदांच चड कशे दिसतात. आमच्या इतले त्रास आनी कोणांक जायना अशें आमकां दिसता. दुसरीं आमचे कांय चड खोशी आसात, सगळो त्रास आमच्या वाट्याक आयलां अशें आमकां दिसता. हें चिंतप सारकें न्हंय त्रास सगळ्यांक आसतात. आडमेळ्यांक सगळ्यांक तोड दिवचें पडटा. हांकां तोंड दिताना स्वाता प्रसन्न रावूण दुसऱ्यांकूय प्रसन्न दवरूंक जाय. आपले कडेन जें आसा तातूंत सुखी रावून सगळ्यां कडेन मोगान उमेदीन वागूंक जाय. हासत खेळत जगूंक जाय.

संवय

मनश्यांचो स्वभाव आनी वावराची तरा तांच्या संवयांचेर आदारुन आसता. एकूच काम परत पतर केल्यार ताची संवय जाता. आमकां सगळ्यां स्वताच्यो संवयो आसतात.

थोड्यो संवयो बऱ्यो जाल्यार थोड्यो वायट आसतात. बऱ्यो संवयो चड आसल्यार बरीं कांमां जातात आनी समाजांत तुमचें बरें जाता. जर वायट संवयो आसल्यार तें वायटपन तुमच्या वावरांत दिश्टी पडटा. आमी वायट आशिल्ल्यायचें लोक सांगता. ज्यो संवयो वायट आसतात तांचें वायट पण आमकां अणभवना. आमकां आमी सारकीं आसात आशें दिसता पूण आमच्या वायट संवयांक लागून आमचे लोकां कडेन वाद, झगडीं जातात.

वायट संवयो आमकां कळनासतना आमकां जातात आनी ह्यो संवयो आमचे वागणूकेंतल्यान दिश्टी पडटात. वायट संवयो जावच्या पयलींच जर त्यो थामयल्यो आनी तांच्या बदलाक बऱ्यो संवयो लावन घेवपाचो यत्न करपाक जाय. ल्हानपणां सांवन आमी आमकां बऱ्यो संवयो लावन घेवपाचो यत्न करपाक जाय. हें करताना खंयच्यो संवयो बऱ्यो आनी खंयच्यो संवयो वायट हें जाणून घेवप खूब महत्वाचें. बेगीन उटप, सगळ्यांक प्रसन्नतायेन जाप दिवप, नमळायेन वागप, वाचन करप, सदांच व्यायाम करप, दुसऱ्यांक मान दिवप, प्रर्थना करप ह्यो कांय बऱ्या संवयो.

फट उलोवप, अभ्यास ना करप, दुसऱ्यांच्यो वस्तू चोरप, शाळा चुकवप, परिक्षेन फटोवप, नितळसाण ना पाळप, असभ्य उलोवप ह्यो कांय वायट संवयो आसात.

एका गांवाचे शिमेर एक पोरनें देवूळ आशिल्ले. त्या देवळांत एकलो चल रावतालो. देवूळ पोन्ने आशिल्ल्यान तो तें निवळ करपाक वावूरतालो. देवळाच्या पोरन्या वण्टींचेर पिंपळाची झाडां जाताली, ती झाडां वण्टींक वायट समजून तो ती हुमटितालो. दिशिल्ली झाडां हुमटून उडोवंक लागलो.

काळांतरान ताका चिंतून आयलें की हें ताजें काम न्हंय, म्हाकां कितें तरी बरें करपाक जाय. हें चिंतून ताणें झाडां हुमटावपाचें थामयलें.

जायत्या वर्सां उपरांत तो त्या देवळा कडेन परत आयलो. त्या देवळाच्या वणटींचेर जायती पिंपळाचीं झाडां जाल्ली. तड तेंप जाल्लूयान व्हड जावन तीं वणटींत खोल रिगिल्ली. ताणें ती हुमटावपाचो प्रयत्न केलो पूण ताजे कडेन तें जालें नां. कांय तेपान त्या झाडांच्या मुनांक लागून देवळाची वणट मोडली. मोडिल्ली वणत पळोवन ताका खूब वायट दिसलें. जर हावें ती झाडां हुमटांवन उडोवपाचें थामोवंक नाशिल्ले जाल्यार आयज ही वणत मोडची नाशिल्ली.

जशें त्या चल्यान पिंपळाचीं झाडां हुमटावपाचें थामयलें तशेंच बरें काम करप थामोवप खूब सोंपे. पूण जेन्ना तीं झाडां व्हड जाली तेन्ना तीं हुवटावंक जाली नां तशेंच जेन्ना आमकां वायट करपाची सवंय जाता ती सोडप सोंपें आसना. ह्यो वायट सवंयो त्या देवळाच्या वणटी भाशेन आमकां मोडटात.

आमी सगळ्यांनी स्वताक बऱ्यो संवयो लावन घेवपाक जाय. बऱ्यो संवयो आमकां बऱ्यो वागणूको आपणांवप शक्य करता. ल्हान भुरगीं जेन्ना चलपाक शिकतात तेन्ना तांकां सुरवातेक खूब त्रास जाता. तीं थकतात, पडटात, रडटात तरी आसतना ती चलपाचें शिकप सोडिनात आनी अशे तरेन ती चलपाक शिकतात. तशेंच बऱ्यो संवयो आपणांयताना घडये त्रास जाता पूण त्यो बऱ्यो संवयो आमी लावन घेवंक जाय. एकदा आमकां बऱ्यो सवंयो लागल्यो कांय आमकां खूब खोस भोगता.

ल्हानपणारुच आमी बऱ्यो संवयो लावन घेवंक जाय. जर अशें घडत जाल्यार त्यो सुटनात आनी आमकां आमचें फुडाराचें जिवीत बरें तरेन जगपाक आदार जाता. आमच्या ल्हान पणारुच जर आमकां वायट सवंयो लागत जाल्यार त्यो आमकां फुडाराक त्रासांत घालतात.